
जाग

वर्स २७ • आंक ४ • नव्हेंबर २०००





जाग

वर्स २७ ◇ आंक ४ ◇ नोवेंबर २०००

संपादपी : रवीन्द्र केळेकार
वांगडी संपादपी : माधवी सरदेसाय
व्यवस्थापक : सुमन्त केळेकार
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय.
अक्षर जुळणी : तन्वी ग्राफिक्स,
बी-०४, आषाढ, माडेल, मडगांव.
छापपी : प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स,
कुंडय इंडस्ट्रियल इस्टेट, कुंडय, गोंय.
वयलें चित्र : पाब्लो पिकासो

ह्या आंकांत

वर्सुकी पटी	:	रु. १००/-
विद्यार्थ्यांखातीर	:	रु. ७५/-
तीन वर्सांची पटी	:	रु. २५०/-

…क वा ड्राफ्ट Jaag Monthly च्या नांवाचो आसचो.
चेक मडगांव भायले बँकेचो आसल्यार रकमेंत
…ा रुपये अदीक जोडचे)

…राचो नामो:
जाग म्हयनाळें
…१-बी, सालदेल अपार्टमेन्ट्स
… द साउदादिश, पाजीफोंड,
…गांव – गोंय ४०३ ६०१.

…कोळ आंकाचें मोल: रु. ९/-

नदर संपादप्याची

राष्ट्रपती भवनांत

'मोगल गार्डन' तीन खेपे पळेल्लें. 'राष्ट्रपती भवन' फकत भायल्यानूच पळोवन संतोस मानिल्लो. फाटीं यशपाल जैन म्हाका भितर घेवन गेले. तांगेल्या एका पुस्तकाचें 'विमोचन' राष्ट्रपतीं हस्तुकीं जावपाचें आशिल्लें. थंय एक पोरणो इश्ट मेळ्ळो. गांधी संग्रहालयांत काम करतालों त्या वेळार वळख जाल्ली. उपरांत आमच्यो वाटो बदल्ल्यो. हांव गोंयांत आयलों, तो सरकारी कर्मचारी जालो. बढत्यो घेत घेत तो राष्ट्रपतिंच्या 'स्टाफा'र कोणसो म्हूण काम करपाक लागलो. पुस्तक विमोचनाचो सुवाळो सोंपतकूच तो म्हाका आपणागेर घेवन गेलो. गाडयेंत हांवें ताका म्हळें, 'अशोक हॉल फकत टी.वी.रूच पळेल्लो. आयज भितर वचून पळोवंक मेळ्ळो.'

'च्ये... तो अशोक हॉल नाशिल्लो. अशोक हॉलांत पुस्तक-विमोचनाचे सुवाळे जायनात. फकत मंत्रीमंडळाच्या सोपूत-सुवाळ्याक, विदेशी राजदूत आपणालें वळख-पत्र राष्ट्रपतींक दिवंक येतात त्या वेळार वा कोणूय विदेशी पावणो राष्ट्रपतींक मेळूंक येता त्या वेळार ताचो उपेग जाता... हो दुसरो हॉल आशिल्लो...'

'वयले झुंबर, वणटी वयलीं चित्रां बी पळोवन म्हाका तो अशोक हॉलसो दिसलो.' हांवें म्हळें.

'खूब जाणांचो तसो अपसमज जाता...'

आमी कितल्या-श्या वर्सांनी मेळिल्ले. म्हूण, मेकळेपणान उलोवपाक लागिल्ले. म्हळें, 'जावं, राष्ट्रपती भवन भितरल्यान पळोवंक मेळ्ळें हाची खोस भोगली... पुणून, खरें सांगूं? म्हाका थंय हांव गांवढळ कसो दिसपाक लागलों... राजेनबाबू हे वास्तूंत कशे रावले जातले, देव जाणा!'

'नीलम संजीव रेड्डींकूय पयलीं पयलीं घुस्मटिल्ले वरी दिसपाक लागिल्लें... म्हाका एक ल्हानसो बंगलो दियात... ही वास्तू म्हाका नाका, अशें ते म्हणपाक लागिल्ले. मागीर तांकां ह्या भपक्याची संवय ज…ली जावंक जाय. आपूण एक ल्हानसो बंगलो आपणाक दियात म्हणटा… हें लेगीत ते विसरले. राजेनबाबूंचेंय अशेंच जाल्लें आसूंक जाय...' ताणें म्हळें.

'कितल्या वर्सां पसून तूं हांगा काम करता?' हांवें विचारलें.

'डॉ. राधाकृष्णन राष्ट्रपती जाल्यात तेन्ना सावन... त्या काळांत राष्ट्रपती भवनाची 'शान' आगळी वेगळीच आशिल्ली. राधाकृष्णन विद्वान आशिल्ले. तांचे खाटेर, खाटे भोंवतणी पुस्तकांच पुस्तकां आसतालीं. सद्दां नव्या नव्या पुस्तकांच्या सांगातांत ते रावताले... 'फिलॉजॉफर किंग' कशे खऱ्यांनीच सोबताले. संवसारभरचे व्हड व्हड विद्वान तांकां मेळपाक येताले. तांकां लागून राष्ट्रपती भवनाची सोबा वाडिल्ली... तांचीं भाशणां तेच तयार करताले... कोणें बरोवन दिल्लें भाशण तांणी केन्ना वाचूंक ना... केन्ना केन्ना ex[…]mpore बेस बरें उलयताले.... ही शान डॉ. झाकिर हुसेनां मेरेन चल्ली. उपरांत ती जी गेली ती परती पळोवंक मेळ्ळी ना. इन्दिराजीन रुपयाचें अवमूल्यन केलें ते बरोबर देशांतल्या सगळ्या मोलांचें अ[…] जालें. राष्ट्रपतीपदाचेंय जालें. इमर्जन्सिच्या काळांत इन्दिराजी[…] गान गतचे राष्ट्रपती फकरूद्दीन अली अहमदांक न्हिदेंतल्यान […] आ[…] 'कस[…]'चेर तांची सय घेतली त्या दिसा सावन राष्ट्रपतीपदाचें मोल […] ना जालें...

पुणून राष्ट्रपतीपदाचें मोल […]णें ज[…] आसलें तरूय ताच्या भपक्यांत वा चकचकांत लकलकांत म[…]त पसून […]णें पडूंक ना. व्हायसरॉय हे वास्तूंत रावतालो त्या वेळार जो भपको आशि[…]लो तोच आयजूय चलत आसा. ह्या चकचकांत कि[…] उणें पडूंक पावचें न्हय म्हूण सरकार वर्सांतल्यान

सुमार वीस कोटी रुपये खर्च करता... सुमार दोन हजार सरकारी कर्मचारी (येंप्रेगाद) हांगा काम करतात (म्हळ्यार, कितेंच करिनात). राष्ट्रपतीक 'राखपा' खातीर सेक्युरिटिचे सुमार तीनशें मनीस दीस रात हांगा वावुरतात. ते भायर, चाळीस लश्करी 'चौकीदार', देडशां वयर 'अंगरक्षक'... तीनशें माळी आनी 'मिसलेनियस स्टाफ' (= फुटकळ, फालतू) सुमार साडे तीनशें जाणांचो आसा.

सुमार सात्तीस (३७) सालां (ड्रॉइंग रुम्स) आनी एक व्हड 'बँक्वे हॉल' आसा... अशोक हॉला भाशेन ह्याय हॉलांत तुका व्हडले व्हडले झुम्बर पळोवंक मेळटले. वणटींचेर संवसारांतल्या व्हडल्या व्हडल्या चित्रकारांचीं 'ओरिजिनल' चित्रां हुमकळायिल्लीं दिश्टी पडटलीं... पांचशें पांचशें लोक पावतीत येदीं दोन थेटरां आसात.

लाँड्रींत सदां आठ एक हजार कपडे धुवपाक वतात.

बँक्वे हॉलांत 'खानसामा', 'बटलर' बी मेळून साडे तीनशें मनीस काम करतात. एका एका दरवट्या मुखार दोग दोग जाण उबे आसतात. तांकां 'हुजूरिया' म्हणटात. तांचें काम दरवटो उकतो करप, दरवटो धांपप आनी कोण येता वता ताका कमर बागोवन सलाम करप.

तीनशें चाळीस व्हड कुडी आसात.

एक गोल्फ कोर्ट, पांच टेनिस कोर्ट.

एटेंडंट दोनशें. सान्न मारपी देडशें.

गॅरेजींत पंदरा गाडयो. एक रोल्सरॉइस, एक मर्सेडिस बॅन्झ (स दारांची), एक शेवरले, एक कॅडिलॅक (देशी गाडी एकूय ना). मर्सेडिस बॅन्झचो उपेग वर्सातल्यान फकत एकूच खेपे जाता... गणतंत्र दिसा.

गाडयां भायर पोलंडच्यान हाडिल्ले घोडे एक डझन आसात. तांचें काम राष्ट्रपतीची 'बग्गी' ओडपाचें. हांचे भायर वेगळ्या वेगळ्या जातिंचे एकशें तीस घोडे आसात...'

हें सगळें आयकता आसतना म्हाका मर्दी मर्दी प्रस्न पडपाक लागलो, ही आयकतां ती वर्णना आमच्या देशाच्या राष्ट्रपती भवनाची काय अमेरिकेंतल्या राष्ट्रपती भवनाची (व्हायट हाउसाची)? अमेरिका हो संवसारांतलो गिरेस्तांतलो गिरेस्त एक देश. थंयच्या राष्ट्रपतिचो धेंक लोकांचेर उरपा खातीर सरका[illegible] सु[illegible]ारा भायर खर्च केलो जाल्यार, समजूं येता. पुणून ज्या देशांत शंबरांतल्या [illegible]न्नास जाणांक जेवपाक लेगीत दोन वेळचें अन्न मेळना, शंबरांतल्या पन्नास बाय[illegible]ांक कूड धांपपा खातीर सारकें लुगट मेळना, थंयच्या राष्ट्रपतिचो धेंक लोक[illegible] [illegible]दवरपा खातीर सरकारान वर्सातल्यान वीस कोटी रुपये खर्च करचो?

पुर्तुगाल साम्राज्यवादी देस आशिल्लो त्या वेळार राष्ट्रपतीक रावपा खातीर सरकारान एक राष्ट्रपती भवन बांदिल्लें. कार्मोना, क्रावैरु लॉपिश सारकेले ह्याच भवनांत रावन गेल्यात. पुर्तुगालान साम्राज्यवादांतल्यान आपणाली सुटका करून घेतली ते उपरांत, मारियु सुआरिश पुर्तुगालाचो राष्ट्रपती जाला. तो खंय[illegible]प्राय विदेशी पावण्याक येवकार दिवपा खातीर वा विदेशी राजदुतांचीं वळख[illegible] [illegible]वपा खातीर – फकत इतलेच खातीर – राष्ट्रपती भवनांत गेला. रावला [illegible]ालेच मालकेच्या बंगल्यांत. चकचक झगझग कसलोच नाशिल्ल्या. भारताच्या राष्ट्रपतीनूय असल्या[illegible] एका सादया बंगल्यांत रावं येतालें. रावंक जाय अ[illegible]. देश गरीब म्हूण न्हय. बुद्ध गांधीचो हो देश म्हुण्णूय न्हय. सभ्य आनी [illegible]कारी देशाक असलो गांवढळ 'व्हल्गर' भपको सोबना म्हूण [illegible] [illegible]शिल्लें. इं[illegible]चे मुस्तींत व्हायसरॉय हे [illegible] [illegible] तेन्ना व्हायसरा[illegible] [illegible]क, सोबेचें पद नाशिल्लें. पुराय देशाच्या राजकारभाराचेर [illegible] बारीक नदर दवरची पडटाली. राष्ट्रपतींचेर आयज असली कसलीच जापसालदारकी ना. तेन्ना राष्ट्रपतीन व्हायसरॉयां भाशेन रावप देशाचे मानमर्यादिक सोबना.

एक खरें, दिल्लीक वचून जो रावता, तो थोड्याच दिसां भितर 'शहेनशाह' वा 'लॉर्ड' जाले बगर रावना.

देशान ह्या धव्या हतयांचो भार तकले वयलो जाता तितले बेगीन देंवो जाय.

अ-सरकारी असर-कारी

राजस्थानांत 'भांवता कोल्याला' नांवाचो एक गांव आसा. एका क[illegible] वयलो कुचकुचीत रुखावळिचो, पांचव्याचार शेतांचो गांव हो. अरवरी नां[illegible] एक न्हंय ह्या गांवांतल्यान व्हांवताली. कितें म्हूण कोण जाणा, रूख दि[illegible] पडनाफुडें कांय जाणांक ते मारपाची कूय येता. तशी ह्याय गांवच्या लो[illegible] आयली. तांणी रूख कचाकच मारून उडयले. परिणाम – पावशी [illegible] जीं केन्ना पावस शिंवरायले बगर हांगासल्ल्यान वचनाशिल्लीं तीं भा[illegible] भायर उबून वचपाक लागलीं. एक दीस अरवरी न्हंयूय सुकून गेली. उ[illegible] विणें शेतां पडंग पडलीं. पोटा पाणयाचो प्रस्न सोडोवपाक लोक लागसार[illegible] शारांनी वचपाक लागले. थोडींच घरां उरिल्लीं.

न्हंय सुकून कांय शेंकडे जाल्ले आनी गांव वशाड पडून कांय द[illegible] जाल्लीं. गिमा दिसांत सरकार हांगा टँकरांतल्यान उदक हाडून दितालें. वर्सांचीं वर्सां अशें चलत आयिल्लें.

१९८८त राजेन्दर सिंग नांवाचो एकलो कर्तुत्वी मनीस ह्या गांवांत आ[illegible] गांवच्या लोकांक ताणें सांगलें, 'चलात, म्हजे बरोबर येयात. अंदू[illegible] सगळो पावस आमी आडावन दवरुंया.' लोक कुदळी खोरीं घेवन [illegible] फाटल्यान गेले. तांणी वचत थंय व्हडलीं व्हडलीं नेमां मारलीं. कांय ने[illegible] तळयां सारकें रूप दिलें. त्या वर्सा पावस आयलो ताचो एक थेंब [illegible] तांणी व्हांवन वचूंक दिलो ना. सगळो जमनींत जिरयलो. ल्हवू ल्हवू भोंव[illegible] गांवूय ताचे फाटल्यान गेले. णव वर्सां भितर तांणी सत्तर गांवांनी [illegible] दोनशीं ल्हान व्हड तळयो बांदून काडल्यो.

आयज वचून पळेयात —

कांय शेंकड्यां आर्दी सुकून गेल्ली न्हंय दोनूय तडी भरून बाराय म[illegible] व्हांवपाक लागल्या. भोंवतणची निसूक जाल्ली भूंय न्हंयेच्या उदकाक त[illegible] पांचवीचार जाल्या. कांय रूख वयर सरल्यात. ते पावशी कुषां ओडून हा[illegible] आनी गांव चिप्प ओले जातात. सत्तरूय गांव 'समृद्ध' जाल्यात. प[illegible] गांवांत गोरवां नाशिल्लीं. आतां गोरवां आयल्यांत. दूद भरपूर मेळपाक ला[illegible] रखरखीत गिमांत लेगीत आतां हांगासरल्यो बांयो भरिल्ल्यो आसतात.

तंत्रज्ञान? परंपरेन चलत आयलां तें.

सरकारी आधार? देड दमडेचोय ना. लोकांनी सगळें श्रमदाना[illegible] केलां. थोडो भोव पयसो जाय पडलो तो शारांनी वचून राविल्ल्या गांवम[illegible] दिला. चौथ्या वांट्या इतलोच. तीन वांटे गांवच्या लोकांनी काडला. प[illegible] चलत आयिल्ल्या ज्ञानाच्या आधारान मोट्यांतलो मोटो एक प्रस्न ह्या लो[illegible] फकत श्रमदानान सोडयला.

सरकारी आधारा बगर हो विकास घडोवन हाडला, हें म्हत्त्वाचें.

दिल्ली सावन सुमार तीनशीं किलोमिटरांचे वाटेर आसा हो गांव. [illegible] नात. हाका लागून मोटार घेवन वचचें थरलें जाल्यार गांवांत पावपा[illegible] वरां तरी लागतात. दिल्लीक इतलो लागीं आसुनूय दिल्ली पसून [illegible] पयस उरला हो गांव!

पुणून दिव्या दांडये भाशेन तो लोकांक काळखांत वाट दाखोवपाक ला[illegible]! अ-सरकारी कामांच असर-कारी जातात म्हणटात तें लटीक न्हय.

विचित्र योगायोग

कांय गजाली विचित्र तरेन कश्यो जुळून येतात, समजना. नियतिचें[illegible] योगायोगाचें कितेंय नातें आसा जाल्यार, खबर ना.

राजकी मळा वयल्या उलाढालिंच्यो हळशिकावण्यो खबरो वाचून-[illegible]

ी ायकून आयकून जीव उबगल्लो. खंय तरी उठून वचचें अशें दिशिल्लें.
न देसता तें केन्ना सपसप घडून आयलां व्हय ? नदर आपर्शीच पुस्तकांचे
रम्ाचेर पडली. तुलसी, सूर, कबीर, मीरा उलो मारतात काय किते
ो बाव आयलो. हिन्दी, मराठी, गुजराती, बंगाली संतांचीं ३६५ पदां
न ची अर्थावणी बरोवची अशें कितल्याश्या वर्सां पसून मनांत घोळटालें.
रे यलो म्हजो काळ आतां सोंपपा कडेन पावला. वचचे पयलीं हें म्हजें
मा पुस्तक' म्हूण कोंकणीक ओंपून वचचें अशें दिसतालें. म्हूण, वियोगी
वें त-सुधा-सार काडलें. नदर दादू दयालाच्या पदांचेर पडली.

बरो वर्सां जालीं, दिल्लीच्यान मुम्बय येतालों. दुसऱ्या वर्गाच्या ए-सी
ांत बशिल्लों. म्हजे मुखा वयल्या 'बर्था'र चाळीस पंचेचाळीस वर्सांचे
यो एक देखणो साधू येवन बसलो. हातांत एक पिशवी आनी खांक्यांत
ळा गुटलायल्लें हांतरूण, इतलेंच सामान घेवन चडिल्लो. ताका पावपाक
ान कितलेशे जाण आयिल्ले. चडश्यो बायलो. गाडी सुट्टकूच ताचें
पाळून पळेलें. शुचिर्भूत दिसलें. पुणून अनवळखी मनशा कडेन आपूण
नउलोवप म्हाका केन्ना सारकें जमलें ना. तोवूय म्हजे सारकोच. कांय
या ना. मोन्यांनी बसून रावलो. थोड्या वेळान म्हजी कॉफी आयली.
ाका विचारलें, 'कॉफी लेंगे ? मेरे पास एक खाली गिलास है, आपको
के सकता हूँ.'

ुक्रिया... कोई जरुरत नहीं.'

ी घेतां घेतां हांवें ताका विचारलें, 'किस पंथ के साधू हैं आप,
ा ?'

दा पंथ का', ताणें जाप दिली.

हा हें नांव सामकेंच नवें नाशिल्लें. पुणून कांयच खबर नाशिल्लें.
ाले म्हूण एक संत जावन गेला आनी उत्तर भारतांत ताचो पंथ
चता, कबीर पंथा भाशेन, इतलेंच आयकल्लें. पुणून कांयच वाचूंक
ाशिल्लें. हांवें म्हळें, 'दादूचें नांव आयकलां, पुणून ताचे संबंदान
लें कांय म्हाका खबर ना.'

क आसतले ? दादूक अजून साहित्यिकारांच्या संवसारांत सूर, तुलसी,
ाळ्या तशी प्रतिष्ठा मेळूंक पावूंक ना. काल पयर मेरेन कबीराकूय
ाशिल्ली. पं. हजारीप्रसाद द्विवेदीजींनी ताका 'भाषा का डिक्टेटर'
ानी ताचेर आपणालो **कबीर** ग्रंथ बरयलो तेन्नाच ताका साहित्यकार
ूं पावल्यात. ते पयलीं तो अन्नाडी लोकांचोच संत उरिल्लो.
ीसादजींक प्रेरणा रवीन्द्रनाथां कडल्यान मेळिल्ली. शान्तिनिकेतनांतले
ेक सांगाती क्षितिमोहन सेन संत-साहित्याचे एक व्हड भक्त आनी
व्ह जाणकार. उत्तर भारतांत साधूंच्या अड्ड्यांचेर वचून बसताले
ांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळटात तीं पदां बरोवन घेताले. (ते
टेप रेकॉर्डर येवंक नाशिल्लो.) तांणी कबीराच्या पदांचे बंगाली अणकारां
ा ग्रंथ संपादीत केल्ले. रवीन्द्रनाथांनी तांतलीं शंबर पदां वेंचून Poems
ir ह्या नांवान इंग्रजींत अणकार केलो. तो हजारीबाबूंक प्रेरणा दिवंक
ा दादू दयालाक असलो कोण पंडीत अजून मेळूंक ना.'

ी जिज्ञासा वाडिल्ली पळोवन ताणें म्हळें, 'दादू मुदलांत कबीरपंथी.
उपरांत सुमार देडशें वर्सांनी आयिल्लो. मजा म्हळ्यार, दोगांयचें
सारकें. कबीर वाराणसींतले एके ब्राह्मण विधवेक जाल्लो. अब्रू
ा खातीर तिणें ताका जल्माक येनाफुडें गंगेचे तडीर व्हरून सोडलो.
मुसलमानाक मेळ्ळो. घरा व्हरून ताका ह्या मुसलमानान ल्हानाचो
ो. दादूचो जल्म अहमदाबादेंतले एके गुजराती ब्राह्मण चलयेच्या
लग्न जावचे पयलीं) जाल्लो. ताका तिणें साबरमती न्हंयेचे तडीर
ोडलो. तोवूय एका मुसलमानाचे नदरेक पडलो. ताका तो घरा
यलो. दोगूय जल्मान ब्राह्मण. संस्कारान मुसलमान. दोगूय सरसमान
संत. दोगूय व्हड धर्मसुधारक. दोगांचीय भास धोंगांपोंगांची. पुणून
ओजस्वी. सभावान मात दोगूय साप्प वेगळे. कबीर उग्र आनी कठोर. दादू
दयेचो सागर. दादूक दादू दयाल म्हणटात ताचे फाटल्यान एक कथा आसा.
सनातनी ब्राह्मणांक तो उस्तऱ्यां गेल्लो. ते दादू आड गेल्ले. एक खेपे
दादू ध्यानांत गुल्ल आसा सो पळोवन सनातनी लोक विटो आनी चुनो
घेवन आयले आनी तो ध्यानाक बशिल्लो ते कुडिचें दार तांणी पुरयलें.
कांय वेळान दादू ध्यानांतल्यान उठलो. दारा सरीं येवन पळेत जाल्यार
दाराची वणत जाल्या. आशिल्लो तसो आपणाल्या आसनार वचून बसलो
आनी पर्थून ध्यान करपाक लागलो. चार दीस समाधींत उरलो. तागेले
शिष्य सांगाती ताका सगळे कडेन सोदपाक लागले. अखेरेक तांणी कुडिच्या
दाराची वणत जाल्ली पळेली. तांणी वणत फोडली. दादूक भायर काडलो
आनी जाणें दार पुरयल्लें ताका धरून ताचे मुखार उबो करून दादूक विचारलें,
'हाका कसली ख्यास्त करची, सांग...'

'ताका ख्यास्त ? ताकाच लागून तर हांव चार दीस देवाच्या सांगातांत
रावंक पावलों... हांव खूब खूब उपकारी आसां ताचो.'

दादूक 'दयाळ' नांव ताच्या असल्या दयेस्त सभावाक लागून लोकांनी
दिल्लें.

दादूच्या संप्रदायाक 'ब्रह्म संप्रदाय' नांवान लोक वळखताले. ल्हवू ल्हवू
ताका लोक 'दादू संप्रदाय' म्हणपाक लागले. सुमार वीस हजार पदां दादून
बरयल्यांत. रज्जद, सुंदरदास, बखना, गरीबदास नांवाचे प्रतिभावंत शिष्य
ताका मेळिल्ले. तांणीय हजारांनी पदां बरयल्यांत.

हांवें म्हळें, 'एकाध भजन सुनायिए दादू का.'

आनी ताणें एक भजन म्हळें, **मन निर्मल तन निर्मल भाई / आन उपाइ बिकार न जाई** – 'मन निर्मळ आसत जाल्यार तनूय निर्मळ जातलें. तन निर्मळ करपाक दुसरो उपाय ना. शाबवान तन घांसलें म्हूण तें निर्मळ जायना' ह्या अर्थाचें. आवाज गोड. तातूंत ताणें पदांत काळीज ओतिल्लें. हाका लागून डब्यांतलें वातावरणूय निर्मळ आनी पवित्र जाल्लें.

ताणें आनीक एक पद म्हळें. तें रामाचें आशिल्लें. दादू निर्गुणवादी. देवाक तो परब्रह्म रुपांतूच वळखतालो. केन्ना केन्ना राम ह्या नांवानूय ताका पाचारतालो. पुणून तागेलो राम अयोध्येचो राजा, दशरथाचो पूत नाशिल्लो. सगळ्यांच्या काळजांत बसला तो राम आशिल्लो.

दादूक दोन धुवो आशिल्ल्यो. त्योवूय बापायची साधना मुखार चलोवपाक लागल्यो. 'साधना तुमकां न्हय' अशें तांकां बापायन सांगलें. आवयन समजायलें. भावान समजायलें. राजान समजायलें. त्यो मात् लेखून बदल्यो नात. तांची कथाय ह्या साधून म्हाका त्या दिसा सांगिल्ली. हांव तें विसरून गेल्लों.

आयज **संत-सुधा-सार** घेवन बसलों. तातुंतल्या दादू दयालाच्या पदांचेर नदर पडना फुडें तांतलीं धा अर्थावणी बरोवपा खातीर वेंचूंक बसलों. अवचीत **मन निर्मल तन निर्मल भाई** पद मेळ्ळें. वाचतां वाचतां साधुचे सुरूय कानांत आयकुपाक येवंक लागले —

मन र्निमल तन निर्मल भाई
    आन उपाइ बिकार न जाई ॥
मन कोयला तो तन कारा
    कोटि करै नहिं जाई बिकारा ।
जो मन बिसहर तो तन भुवंगा
    करै उपाइ निषै फुनि संगा ॥

मन मैला तन उज्जल नाहीं
    बहुत पचिहारे बिकार न जाही ।
मन निर्मल तन निर्मल होई
    दादू साँच बिचारै सोई ॥

— तुजें मन निर्मळ आसलें जाल्यारूच तुजें तन निर्मळ जातलें. ना जाल्यार कसलेय उपाय कर, कितलेय कर ताचेर दाटिल्लो म्हेळ ना जावपाचो ना. मन कोळशा सारकें आसत जाल्यार तनूय काळें कुळकुळीत जातलें. जाय ते उपाय कर ताची काळसाण वचपाची ना. मनांत विक्ख भरिल्लें आसलें (बिसहर) जाल्यार तन सोरपा (भुवंगा) सारकें जातलें. मन म्हेळें आसलें जाल्यार तनूय म्हेळें उरतलें. उजळ जावपाचें ना. यत्न करून करून (परिहारे) तुका पुरो जालें तरूय कशेंच निर्मळ जावपाचें ना. पयलीं मन निर्मळ कर. जाल्यारूच तन निर्मळ जातलें. दुसरो उपाय ना.

शेणिल्लें कितेंय कितल्याश्या वर्सांनी अवचीत मेळ्ळें म्हणटकूच जाता तसली खोस म्हाका जाली. हांव दादूचें हें पद मनांतल्या मनांत गुणगुणपाक लागलों.

त्याच दिसा दादूल्या धुवांचीय कथा मेळ्ळी. हांव 'विचित्र योगायोग' म्हणटां तो हाका.

कितल्याश्या नेमाळ्यांचे आंक घरांत एकठांय जाल्ले. फाटल्या वीस पंचवीस वर्सांचे. हांची कितेंय तरी वेवस्था करूंक जाय अशें दिसतालें. आरमारिंनी तांचे खातीर जागो उरूंक नाशिल्लो. रद्दींत कितें उडयतलों? खूब मोलाचीं नेमाळीं हीं. हांवें माधवीक ह्या आंकां संबंदान सांगलें. 'कोंकणी भाशा मंडळाच्या वाचनालयाक दिवंया' ताणें म्हळें. गुजराती नेमाळ्यांचे कांय आंक आशिल्ले. हांची म्हळें, वेगळी कितेंय वेवस्था करची पडटली. **संस्कृति**चे आंक ओगीच चाळूंक बसलों. एका आंकांत अवचीत दादू दयालाच्या धुवांची ती कथा दिश्टी पडली. बरयल्लीय क्षितिमोहन सेनांनी. म्हळ्यार, एका अधिकारी मनशान. वाचपाक लागलों—

धुवो वयार आयल्यो तेन्ना दादू तांचे खातीर थळां सोदपाक लागलो. दोगीय धुवांनी लग्न जावप ना अशें थारायल्लें. बापूय थळां सोदता म्हणपाची सुलूस लागनाफुडें दोगींयनी बापायक म्हळें, 'वंशाची परंपरा आनी साधनेची परंपरा दोनूय सांबाळपाची तांक आमच्यांत ना... आमी साधनेची परंपराच फुडें चलोवपाचो नित्शय केला... ह्या नित्शया पसून बाबा आमकां कडेक काडटलो?'

दादू कितें जाप दितलो? ताणें धुवांचे आवयक सांगलें, 'हांकां लग्नाक त्कार करप म्हाका जमपाचें ना, तूं पळे जमता जाल्यार.' तिणें धुवांक सांगलें, 'ही साधना बिधना म्हणटात ती आमकां बायलांक न्हय... आमी आमचे शिमे भितरूच रावंक जाय... घर-दार, भुरगीं-बाळां होच आमचो संवसार... हीच आमची शीम...'

धुवांनी म्हळें, 'मन एकल्याचेर बशिल्लें आसतना लग्न दुसऱ्या कडेन करप हाका तूं व्यभिचार म्हणटा न्हय?... आमकां साधनेची ओड लागिल्ली आसतना आतां लग्नाची ओड लावन घेतली जाल्यार तो व्यभिचार जावचो ना?'

आवय ओगी पडली.

तिणें पुताक सांगलें, 'तुंवेंच दोगींकूय मुखार काडून साधनेच्या मार्गार हाडिल्ल्यो... तुंवेंच तांकां माथ्यार घेतल्यात. तांकां समजावपाचें काम तुंवेंच करूंक जाय आतां...'

'पळेतां यत्न करून', ताणें म्हळें आनी तो तांचे सरीं गेलो. 'तुमी साधनेच्या उज्यांत आपणाक भाजून काडपाचें थारायलां, बरें आसा... हांव तुमकां हो मार्ग सोडात म्हणचों ना... पुणून एक गजाल तुमच्या लक्षांत हाडूंक सोदतां... तुमी हो निर्णय ऐन ल्हानपणी मिरायेर घेतला... तो सदांकाळ तिगून उरतलो काय कितें, म्हाका दुबावें आसा. तरणे मिरायेर मनीस सारकें येवजी नासतना कसलेय निर्णय घेता. मागीर ताका पच्छाताप जाता. पुणून तेन्ना खूब कळाव जाल्लो आसता... आमी लग्न केलें ना हें आमचें चुकलें म्हणपाचें तुमकां केन्ना दिसचेंच ना हाचें तुमकां खरेपण आसा व्हय? येवजून सांगात... मागीर पच्छाताप नाका...'

भयणिंनी म्हळें, 'मनीस सदां पडटाच अशें आसा व्हय? बाबानूच त म्हळां, **दीप लगाये तेल जरा चडि है** – तेलाची गती अधोगामी. सकयल दिकेन व्हांवपाची. पुणून वात मात्शी पेटय, तेल वयर चडपाक लागतलें... आमच्यांत जी दैवी शक्त आसा ती आमच्यांतले पशू-शक्तिचेर जैत जोडचे ना व्हय? हें जैत जोडपा खातिरूच तर साधना करतात... जांकां ऐ तरणेपणांत लग्न करचें-शें दिसलें ना तांकां जाणट्यो जातकूच लग्न करचेंशें दिसतलें?... तूं आमचो हुसको करूं नाका... आमी पडचीं नात, इतलें लक्षांत दवर... तूं फकत आमकां आशिर्वाद दी...'

भावाचेंय कांय चल्लें ना तेन्ना आवयन दोगींयच्या इश्टिणींक मुखार काडल्यो. 'कितें आडायलां गो तुमी हें? बायल-मनीस केन्ना साधने-बिधनेचे भानगडींत पडिल्ल्यो पळेल्यात तुमी? साधना दादल्यांक बरी. साधनेचो हट सोडून आमचे सारक्यो कोणायच्यो घरकान्नी जावन रावात.' तांणी दोगींकूय सांगलें. दोगीय म्हणपाक लागल्यो, 'बायलांच्यो दुस्मान बायलोच आसतात म्हणटात तें लटीक न्हय. तुमीच तें दाखोवन दितात. बायलो दुबळ्यो (अबला), तांचे कडल्यान साधना-बिधना जावपाची ना हें सांगतना तुमकां लज कशी दिसली ना?... खरेपणानशीं, तुमकां आमचो अभिमान दिसपाचो. आमकां तुमी तेंको दिवपाचो. ताचे बदला तुमी आमचे पांय ओडूंक लागल्यांत? तुमी आमच्यो मैत्रिणी काय वैरिणी? बाबान म्हळां, **नार से कछु होत नाही अस दावा कछु आही**? बायलांच्यान कांय जावचें ना असो दावो कोणाच्यान करूंक जायत व्हय? तांकां संद दिवंक जाय. त्यो कर्तुत्विनी जातल्यो. केन्नाच कोणाक निर्शेवंक दिवच्यो नात...'

इश्टिणी मनांत म्हणपाक लागल्यो, 'हांकां फाटीं ओडप आमकां जमपाचें ना... राजाकूय जमत काय कितें, खरेपण ना.'

राजाच्या कानार ही गजाल पावली. तो दादूचो भक्त. ताणें येवन दोगींकूय सांगलें, 'बायल्यो जल्मान नाजूक. तांकां असली कठीण साधना कशी तांकतली?'

'बाबानूच म्हळां, **पाखन को मक्खन करे, गांठ गांठ लहराई.** कोमरी नाजूक नासता व्हय? पुणून घट्ट पाशाणाक लोणया परस मोव करून ती ताच्या पोटांतल्यान फुटून येताच काय ना?' 'दोगींयनी राजाक म्हळें, 'बायलांक 'तुमी नाजूक' म्हूण सांगून दुबळ्यो दवरतात हें समा न्हय. त्यो दुबळ्यो न्हय. घट्ट काळजांत लेगीत मायेचो पाझर फोडपाची तांक आसता तांच्यांत... तुमी आमचे वाटेक वचूं नाकात...'

राजान पळेलें, सपसप बदपाच्यो नात ह्यो. ताणें म्हळें, 'अजून तुमी ल्हान आसात...'

'वडा पिंपळाचें बीं केदेंशें आसता?' दोगींयनी राजाक विचारलें, 'ह्या ल्हान-श्या बियांतल्यानूच मू वडा पिंपळा सारको रूख वयर सरता?... बीं जमनींत पुरवल्लें आसता तरूय तें जमनी वयल्यान वाट काडून कोमरें जाता आनी सुर्या मुखार हात पातळावन उबें रावता... उज्या कीट केदीशें आसता? पूण येदीशी एकूच कीट रानांत पडूं दी, पुराय रान लासून उडोवपाची तांक तिच्यांत आसताच काय ना?... सगळ्या अडचणिंचेर जैत जोडपा ताकाच तर प्राण म्हणटात. आमच्यांत प्राण आसा, तुमी हुस्को करूं नाकात...'

राजान म्हळें, 'तुमचे साधनेची रीत तरी म्हाका समजावन सांगात...'

'बाबानूच म्हळां, **हारे लाख कुल्हाडी, तहं जीते मलयसमीर...** कुराडेन कितलेय घाय घालात झाडाचेर, ताका एक लेगीत पान फुटपाचें ना. पुणून वसंत रुतुंतलें वारें व्हांवं दी, लाखांनी पानां एकाच वांगडा फुट्टलीं... आमची साधनाय असली वसंत रुतुंतल्या वाऱ्या सारकी... सहज, अळंग... बळ्या साधना जायना...'

राजान म्हळें, 'बरें आसा, आतां निमाणो एक प्रस्न तुमकां विचारतां 'साधनेचो तुमचो क्रम कितें?''

'नक्सो पळोवन घर बांदू येत, झाड वयर काडूंक येना. झाड अळंग वर सरतलें आनी अळंग वाडटलें. **नक्सा हुकूम इमारत चले वृक्ष चले निजलीला.** आमची साधनाय अशीच. **निजलीलेन** चलता...' तांणी राजाक उप दिली.

सगळ्यांनी म्हळें, 'हांकां साधने पसून पयस काडप कोणाकूच जमपाचें न आनी काडपाची गरजूय ना...'

* * *

मनांत म्हळें, केन्ना केन्ना मनशाक कांय गजाली सपनां सुचयतात तशे 'गायोगू'य सुचयतात काय कितें? कितल्याश्या वर्सां उपरांत गाडयेच्या ऱ्यांत त्या साधूच्या ताळ्यांतल्यान आयकल्लें दादूचें **मन निर्मल तन र्मल भाई, आन उपाइ बिकार न जाई** भजन आनी ताणें सांगिल्ली गेल्या धुवांची कथा दोनूय गजाली आयज एकाच दिसा मेळिल्ल्यो पळोवन दूचेर बरो अभ्यास कर अशें हो विचित्र योगायोग सुचयना मू म्हाका? वयता आसूं येता.

दादूचेर कोणें कितें बरयलां तें आतां पळोवचें पडलें. पुणून गोंयांत वन हें जमपाचें ना. दिल्ली प्रयाग वाराणसीक एक भोंवडी मारून येवचें डटलें. केन्ना जमतलें, खबर ना.

कोडसाणिचेर जैत – अंतर मनांतली एक यात्रा

कोंकणीच्या वावरांत गाळी, अपमान, आरोप-हेत्वारोप खूब सोंसचे डल्यात. ओपीनियन पोलांत तर कुसकीं तांतयां, तोमातां, गुंडेय खावचे डल्यात. 'मराठी द्वेष्टो', 'महाराष्ट्र-द्वेष्टो' म्हूण कांय सर्टिफिकेटांय डल्यांत. काकासायब, विनोबा, आचार्य भागवत, अप्पा पटवर्धन, दादा र्माधिकारी सारकेल्यांक जाणें गुरुतुल्य मानले तांचे भाशेचो आनी तांचे ल्मभुंयेचो 'द्वेष' कसो करतलों हांव? पुणून हांव म्हजो बचाव करपाचे ानगडींत केन्ना पडलों ना. जो आपणालो बचाव करपाक मुखार सरता । अंतीं हार खाता म्हणपाचें पळेलां म्हूण, बचावा बदला 'हय, मराठी वेष्टो, महाराष्ट्र-द्वेष्टोच हांव... जांणी गांधींची हत्या केली तांचे जल्मभुंयेक ानी तांचे भाशेक चाटत बसपाचें काय कितें' अशें म्हणून गाळी, अपमान, ारोप हेत्वारोप तांच्याच गळ्यांत परते घालून मेकळो जालां.

गोंयच्या रासवळ मळार 'एक घेतलें जाल्यार दोन दिवंक जाय' होच म चलता. गांधीवादांत बसना तो. नाका बसूं. पुणून Where there s choice only between cowardice and violence, I will hoose violence ह्या गांधी तत्त्वांत तो बसताच बसता.

पुणून एक सांगुंकूच जाय, हांचे मजगतच्या कोणाच संबंदान म्हाका न्नाच कितेंच दिसूंक ना. वायट तर निखालूस दिसूंक ना, तिडकूय केन्ना वंक ना. जांचें साम्राज्यूच कोसळावंक भायर सरलां ताका तांणी गाळी ाल्यो, ताचो अपमान केलो, ताचेर आरोप-हेत्वारोप केले जाल्यार अजाप सलें, तांणी अशेंच करपाचें, अशेंच मानीत आयलां.

आयज तांचे मजगतचे कांय जाण म्हजे इश्टूय जाल्ले पळेतां.

पुणून, जांकां हांवें म्हजे मानले, जांच्या उत्कर्षांत खासा म्हजो उत्कर्ष ळेलो, जे वयर सरचे, खूब व्हड जावचे म्हूण मना पसून आंवडेलों ांचे मजगतच्या कांय जाणांनी म्हाका कोंकणीच्या मळा वयलो भायर ालपाक म्हजे आड एक मोहिमूच उकती केल्ली पळेली, म्हाका 'कृतघ्न' हणपा मेरेन तांचे मजगतचो एकलो पावलो, तेन्ना काळजाक जे खोल ाय जाले ते मात लेगीत सोंसूं नज जाले. ब्रुटसाक सुरो मारपाक आयिल्लो ळोवन सीझराक कितें जालां जातलें ताचो अणभव आयलो. पुणून जावं, म्हळें, Brutus was an honourable man. कोडू जालो तरूय भोव-मोलादीक एक अणभव हो म्हज्या कोंकणी-कार्यांतलो. तो पचोवपाचो यत्न करपाक लागलों. पुणून पचोवंक जमूंक नाका? हलाहल पचोवप एका म्हादेवाकूच जमिल्लें. दुसऱ्या खंयच्याच देवांक जमूंक नाशिल्लें. म्हाका कशें जमतलें?

कांय इश्ट कितलेशे खेपे क्षमा कर तांकां – forgive them म्हूण समजावपाक लागिल्ले. आनी तितलेय खेपे to forgive is Divine, हांव Divine न्हय, human हांव, अशें तांकां सांगीत राविल्लों. देवाचो गूण म्हज्यांत असा अशें म्हजे म्हाका कसो भासयतलों? दुसऱ्यांक फटोवं येत, मनीस खासा आपणाक केन्ना फटोवंक पावना.

एक खरें, येवजून करून कोण चुको करिना. आमकां खबर नासतना त्यो आमचे कडल्यान 'जातात'. To err is human. म्हजेय कडल्यान चुको जाल्यात. खूब जाल्यात. 'जाल्यात' म्हणटां. कित्याक, हांवें त्यो 'करूंक' नात. म्हज्या चुकांक लागून दुसऱ्यांचेर अन्याय जाला वा ते दुखावल्यात म्हणपाची जाणवीक जाल्या तेन्ना हांवें कळाव लावंक ना, नीट उठून तांचे सरीं गेलां आनी sorry म्हणून परतलां. दुसऱ्यांचो अपसमज पयस करपाक, तांची तिडक न्हिवोवपाक खूब आधार दिला म्हाका ह्या इंग्रजी भाशेंतल्या उतरान. इतलें प्रभावशाली उतर आमचे भाशेंत ना. ह्या एका उतरान अपसमजूय पयस केल्यात, तिडकूय न्हिवयल्या, इतलेंच न्हय, तर काळजाचे घायूय पेखयल्यात.

पुणून sorry म्हणप वेगळें आनी क्षमा करप वा मागप वेगळें. चूक 'केल्ली' जाल्यार क्षमा मागूंक येताली. करूं येताली. चूक करूंकूच ना, ती 'जाल्या'. क्षमा कित्याक म्हूण मागपाची / करपाची?

मागीर, क्षमा म्हळ्यार कितें?

ख्रिस्ताच्या जिवितांतलो एक प्रसंग सांगतात—

एकले बायल-मनशेक व्यभिचार करता आसतना लोकांनी धरली आनी ख्रिस्ता मुखार तिका उबी करून तांणी म्हळें, 'हिका व्यभिचार करता आसतना आमी धडधडीत पळेल्या आनी सोमतीच तिका धरून हांगा हाडल्या. म्हालगड्यांनी घालून दिल्ल्या नेमां प्रमाण हिका फातरांनी मारूंक जाय... आमी कितें करपाचें?'

ख्रिस्त खीणभर ओगी रावलो. दुसऱ्याच खिणाक ताणें म्हळें, 'जाचे हस्तुकीं आयजवेर कसलेंच पातक घडूंक ना ताणें तिचेर पयलो फातर मोखून मारचो.' सगळे एकामेकांच्या तोंडा कडेन पळेत रावले. मागीर एक एक करून सगळे कूस मारून थंयचे पळ्ळे. ती एकलीच ख्रिस्ता मुखार उबी उरली. ख्रिस्तान तिका विचारलें, 'तुका कोणेंच ख्यास्त केली ना?'

'ना', तिणें म्हळें.

'वच तूं घरा... परती हे अळशिकेंत पडूं नाका' अशें म्हणून ख्रिस्तान तिका सोडून दिली.

मुखार कितें जालें तें जॉनान आपणाल्या 'गॉस्पेलां'त सांगूंक ना. पुणून आमच्यांनी अदमास करूं येता. तिका धरून हाडटल्यांनी तिका ख्यास्त केली ना, कित्याक तेच खासा पातकी आशिल्ले. आमकां हो अधिकार ना अशें तांकां दिसलें. ख्रिस्त पातकी नाशिल्लो. तरी आसतना ताका तशेंच दिसलें. कित्याक, ख्यास्त करप वा क्षमा करप हो देवाचो अधिकार, तो हांवें म्हज्या हातांत घेवंक जायना, अशें ताका दिसलें. आनी ताणें तिका देवा सुवादीन करून 'देवा, हिका क्षमा कर' अशें मागून सोडून दिली.

हय. पुणून क्षमा करप म्हळ्यार कितें करप हें म्हाका समजलें ना. तें ही कथा आयकून लेगीत समजलेंच ना.

एक दीस एक गुजराती पुस्तक वाचीत बशिल्लों. तातूंत म्हाका 'खमवु' म्हूण एक उतर मेळ्ळें. ह्या उतरा कडेन थोडो वेळ घुटमळत रावलों.

खूब-श्या हिन्द-आर्य कुळयेंतल्या भासांनी जाता. तशें गुजरातींत जालां. क्षमा हें उतर क्षम् वयल्यानूच आयलां म्हणटात. सट्ट करून तकलेंतली ट्यूब-लायट पेटिल्ले वरी जाली. क्षमेचो एक नवोच अर्थ मुखार उकतो जालो. आं, म्हळें, क्षमा करप म्हळ्यार सोंसून घेवप, सहन करप. अशें तर! दुसरो म्हाका गाळी घालता, भंय घालता, पिडटा तो हांवें ताका भियेवचो, ताचे पांय धरचे, हांव करतां तें सोडून ताका जाय तें करचें हे खातिरूच मू? **आक्रुष्टस्य ताडितस्य वा अविकृत चित्तता** – गाळी घालप ना घालप, भेश्टावप ना भेश्टावप ताच्या हातांत आसा. गाळी घेवप ना घेवप, भियेवप ना भियेवप म्हज्या हातांत आसा. ताच्या गाळींक उबगून, ताच्या भेश्टावण्यांक भियेवन म्हजें चित्त विचलित जालें, हाल्लें, उचांबळीत जालें, अस्वस्थ जालें जाल्यार ताच्यो गाळी हांवें घेतल्यो अशें जातलें. ताका हांव भियेलों अशें जातलें. हांव हालिल्ले वरी जातलें आनी ताका म्हजेर जैत जोडून दिल्ले वरी जातलें. ना, हांव म्हजें चित्त हालूंक दिवचों ना. ताका म्हजेर जैत जोडूंक दिवचों ना. हांव हार खावचों ना.'

खिणा भितर काळजांतले सगळे घाय पेखले. आनी एके तरेच्या विमुक्ती-सुखांत पाविल्ले वरी दिसपाक लागलें. आगळो वेगळोच अणभव एक हो. म्हळें, हांव करतालों तें हांणी कर म्हळ्ळें म्हूण करी नाशिल्लों. हांचे सांगणेन करी नाशिल्लों. हांकां विचारुनूय करी नाशिल्लों. म्हजे निजाचे प्रेरणेन आनी म्हज्या काळजाच्या उजवाडान करीत आयिल्लों. हे म्हजे सांगाती जावचे पयलीं, तें कित्याक, हांचे मजगतचे बरेचशे जल्माक येवंक नाशिल्ले ताचे पयलींय सावन करीत आयलां. सगळें म्हजेच प्रेरणेन करीत आयलां. मर्दी हे म्हज्या वावरांत हातभार लावपाक – हांवें आपयनासतना – आयिल्ले. आतां वचात म्हणी नासतना म्हाका सोडून गेल्यात. In this floating world there are many meetings and many partings. वचूं दी वतात तांकां. तूंय तांकां आतां सोडून दी.

आनी हांवें म्हज्या हातांनी तांचीं नांवां आनी रुपां म्हजे तकलेंतलीं साप्प पुसून उडयलीं.

तेन्ना सावन म्हजे पिरायेक झेपता तो वावर हांव मन लावन करीत आसां. एकनिश्ठेन करीत आसां. पुरो जायसर करीत आसां. कोणाच कडेन स्पर्धा करी नासतना करीत आसां.

मर्दी केन्ना केन्ना हांगा थंय ते मेळटात. तेन्ना वाळवो पेंचून 'बरे मू?' अशें एकामेकांक विचारतात. हाचे पेल्यान आमचो संवाद जायना.

म्हजे परस चड गोदूबाय दुखावल्लें. तें आमकां पळेता आनी म्हणटा, तुमचे संबंद पयलीं सारके उरूंक नात. बऱ्याच वयल्या पांवड्यार गेल्यात. डिप्लोमेटिक जाल्यात.

आनी हांव ताच्या तोंडा कडेन पळोवन मुमुरख्यांनी हांसतां.

* * *

ऑक्टोबर म्हयन्याचे अखेरेक वाचप्यांच्या हातांत पडपाचो दिवाळी आंक नव्हेंबर म्हयन्याचे अखेरेक पडटा हाची आमकां खूब खंत आसा. कांय अडचणी आशिल्ल्यो पूण वाचप्यांची माफी मागूंकूच जाय. मागतात...

— वावुरपी संपाद

शिकिल्ले अनाडी

मूळ हिन्दी : विनोदिनी गोयंका

अणकार : उदय देशप्रभू

''बरो फुडार, खूब जोड, अमेरिकेंत ट्रेनिंग आनी परदेसांत नोकरी
ळोवंक सोदपी तरणाट्यांनी बेगिनूच 'इंडो अमेरिकन प्लेसमेंट कंपनी'
डेन संपर्क करचो.''

अशी जायरात शारांतल्या एका नांवाजत्या दिसाळ्यांत छापून आयिल्ली.
द्यापिठाची डिग्री घेवन जातकच राजेश कंप्यूटराचे कितलेशेच कोर्स
रून घरा बेकार आशिल्लो. ताचे तकलेर परदेसांत वचून पौंड, डॉलर
ाडपाचें भूत बशिल्लें. ल्हानपणा सावन राजेश विदेशांत वचून नोकरी
रपाचीं सपनां पळेतालो. सिनेमाच्या पड्ड्याचेर अमेरिका वा इंग्लंड
सतालें, तेन्ना थंय वचपाक ताचें मन आशेतालें. तो इश्टांक आनी हेरांक
ंगतालो, ''आमच्या देशांत कितें दवरलां ? दीसरात मरसर कश्ट करात
ानी इतलेंय करून फकत कश्टान जिवीत सारपा इतलेच पयशे हातार
ड्टात. परदेसांत वचपी थंयचे डॉलर जोडून घर बांदूंक पावतात, गाडी
ंक पावतात. ते भायर परदेसांत खूब स्वातंत्र्य आसता. थंय मौज
जा करपाक मेळटा. हांगा दर एके गजालीक आडखळी. घरा येवपाक
ीर कित्याक जालो, सकाळीं उसरान उठ्ठा कित्याक, चड न्हिदल्यार
द्धी भ्रश्ट जाता, भायर सदांच कित्याक खावपाक जाय, असल्या प्रस्नांची
ळेरीच आयकुची पडटा. तातूंत मन विट्टा.''

भुलोवणे जायराती कडेन पळोवन राजेशाक आपल्या मनांतलीं सपनां
ातां खरीं जातलीं अशें दिसूंक लागलें. वगत करी नासतना ताणें ते
पनींत वचून वासपूस केली. कंपनिच्या ऑफिसांत पावल दवरनाफुडेंच
ाका बरें दिसपाक लागलें. सोबीत अशा वातावरणांत एअर कंडिशन्ड
लांत बसपा खातीर सोफा बी आसले आनी रिसॅप्शन काउंटराचेर सुंदर,
कअप केल्ली, विदेशी मोदिचे कपडे घाल्ली चली हांसतें मुखामळ घेवन
शिल्ली. तिका पळोवन राजेश भुल्लुसलो. चलयेन आपल्या उतरांनी
ंव घोळ्यत विचारलें, ''म्हज्यान तुमचे खातीर कितें करूं येता ?''

राजेशान सांगलें, तो विदेशांत नोकरी करपाक सोदता. आयज तांची
ायरात पळोवन हांगा आयला. तेन्ना ते चलयेन राजेशा कडल्यान एक
ॉर्म भरून घेतलो आनी ताका थंय मात्सो वेळ बसपाक सांगलें. राजेशाक
गळें सपन शें दिसपाक लागलें. आपले तनरेंतल्यान जागो जावन ताणें
य वशिंनी पळयलें तेन्ना ताका थंय पयलींच येवन बशिल्ले आनिकूय
च-स भुरगे दिसले.

एका वरान सुमार ताका भितर आपयलो. त्या रुमाची सजावट पळोवन
सामकोच अजापलो. कांय खिणां उपरांत एका रुबाबी आवाजान ताका
कलो. उबो रावन ताका हात दिलो आनी म्हळें, ''हांव जेकब.'' लांबरुंद
नी गोरोपिट्ट मिस्टर जेकब फॉरिनर कसोच दिसतालो. ताका पळोवनूच
जेशाक खात्री जाली, हो खऱ्यांनीच आपल्याक परदेसांत नोकरी दितलो.

मिस्टर जेकबान ताचो फॉर्म बारीकसाणेन पळोवन म्हळें, ''हां, तुवें
युटराचे कितलेशेच कोर्स केल्यात तर... परदेसांत तुका एक बरीशी
करी मेळूंकूच जाय. कारण आयज संवसारांत कंप्युटरा बगर एक पान
ीत हालना. अमेरिकेंत जाल्यार कंप्यूटर शिकिल्ल्यांक सोमतेच कामार
ात. पूण पयलीं तुका आमची एक परिक्षा पास करची पडटली. तेन्नाच
ें कितेंय जावं येता. शेनवार दीस धा वरांचेर परिक्षेक हांगा पावपाचें.''

राजेश प्रसन्न मनान घरा परतलो. तो घरच्यां कडेन कंपनी संबंदान
बडायो मारपाक लागलो. शेनवार दीस सांगिल्ले भशेन राजेश टॅस्ट दिवन
आयलो. टॅस्ट सामकी सोंपी आसली. राजेशान बऱ्यो जापो दिल्ल्यो. चार
दिसां उपरांत त्याच म्हौंवाळ आवाजाचो फोन आयलो. राजेश टॅस्टींत
पास जाल्लो आनी ताका फुडले कारवाये खातीर जेकब सायबान कंपनिचे
कचेरेंत आपयल्लो.

दुसऱ्या दिसा राजेश भियेत भियेत जेकब सायबाक मेळपाक कंपनिचे
कचेरेंत पावलो. जेकब सायबान आपलेपणान राजेशाच्या खांदार हात दवरलो
आनी ताका सांगलें, अमेरिकेंतल्या कंपन्यां कडेन संपर्क करपाक तशेंच
हेर तरांच्या कागदी कारवायां खातीर ताका ऑफिसांत दोन लाख रुपयांचो
ॲडवान्स दवरचो पडटलो. उपरांत तीन म्हयने ताका अमेरिकन पद्धतिचें
ट्रेनिंग हांगाच, तांचे संस्थेंत मेळटलें. ते मेरेन अमेरिकेंत ताका जॉब मेळोवन
दिवपाचो प्रयत्न संस्था करतली. तीन म्हयन्यांच्या ट्रेनिंगा खातीर संस्थेची
फी म्हूण म्हयन्याक स हजार भरचे पडटले. अमेरिकेंत नोकरी मेळटली
हाची तांकां खात्री आशिल्ली. तरी तीन म्हयने मेरेन नोकरेचें पत्र आयलें
ना जाल्यार हेच संस्थेंत ताका कंप्युटराचेर काम मेळटलें. आनी हे खातीर
ताका म्हयन्याक स हजार रुपया पगार मेळटलो.

हें सगळें आयकून आनी खर्चाचो अदमास येवन राजेशाचे उमेदिचेर
उदक पडलें.

एका मध्यमवर्गी कुटुंबांतल्या राजेशान आपल्या बापाय मुखार हो प्रस्ताव
दवरलो तेन्ना बापायक पयलीं राग आयलो. कांय वेळा उपरांत बापायन
ताका समजायत सांगलें, ''पुता, घरची परिस्थिती तूं जाणा. आमी खंयच्यान
इतले पयशे हाडटलीं ? तुजीं आनीक तीन भांवडां आसात. तांकांय वाडोवंक,
शिकोवंक पयशे जाय. हें अमेरिकेचें भूत मनांतल्यान काडून उडय आनी
हांगाच भारतांत बरीशी नोकरी पळय. आमचे लागीं रावशीत, आमकांय
बरें दिसतलें. आमकांय आधार जातलो. आतां हांव जाणटो जालां, दुयेंत
आसतां. पुता, म्हाकाय तुजी गरज आसा. तूं परदेसांत गेलो जाल्यार
सामको परकी जातलो.''

पूण राजेशाचेर तर परदेसांत वचपाचें भूत बशिल्लें. ताणें तिडकीन
बापायक म्हळें,

''पापा, तूं आपल्या सुवार्थाक लागून म्हजो फुडार पिड्डयार करपाक
सोदता ? कितल्या ल्हान काळजाचो तूं ? तुजे कडेन जमीन आसा, आई
कडेन भांगर आसा. सगळें विकून फकत एकूच फावट म्हाका परदेसांत
धाडात, मागीर पळेयात हांव थंय सावन डॉलर कमोवन कितले पयशे
तुमकां धाडटां ते. सगळें घर भरून वतलें. तुमी जमीन भांगर सगळें
परतीं विकतें घेवंक पावतलीं.''

राजेशाच्या हट्टा फुडें ताचो बापूय लाचार जालो. राजेश जेवण-खाण
सगळें सोडून कुडींत न्हिदून रावतालो. बापायन खूब वर्सां पयलीं घर
बांदपाक म्हूण एक जमनिचो कुडको विकतो घेवन दवरिल्लो. तो ताणें
विकून उडयलो आनी तांतले दोन लाख रुपया राजेशाक दिवन उडयले.
पयशे घेवन राजेश व्हडे खोशयेन 'इंडो अमेरिकन कंपनि'च्या ऑफिसांत
गेलो आनी जेकब सायबा कडेन ते दिले. आनी जेकब सायबान राजेशाक
परदेसांत बेगिनूच एक बरीशी नोकरी दिवपाचें उतरूय दिलें.

आतां राजेश सद्दां ट्रेनिंग कोर्स करपाक संस्थेंत वतालो. दीस वताले

तशें तशें राजेशाचें मन अधीर जातालें. केन्ना केन्ना तो जेकबाक आपले नोकरे संबंदान विचारतालो तेन्ना जेकब ताका सांगतालो, तांचे पुराय यत्न चालू आसात आनी रोखडीच ताका परदेसांत नोकरी लागपाचीय आसा. घरा पावतालो तेन्ना घरचींय ताका तेंच विचारून बेजार करतालीं. तांकां कितें जाप दिवप, ताकाय कळ नासलें. तो तांचे फुड्यांत येवपाकूच कांचवेतालो. खूब उसरान घरा येतालो आनी जेवन मोन्यांनी न्हिदतालो. सकाळीं उठून घरा भायर सरतालो.

एक दीस जेकब सायबान ताका सांगलें, ॲटलांटा शारांत तीन हजार डॉलर म्हयन्याक पगार मेळपी नोकरी ताका मेळ्ळ्या. हें आयकून राजेश खुशालभरीत जालो. ताचीं पावलां जमनीर उरनात जालीं.

दुसऱ्या दिसा जेकब सायबान ताका सांगलें, ''आतां विमानाचे तिकेटी खातीर, व्हिसा खातीर आनी वाटेंत लागपी खर्चा खातीर डॉलर विकते घेवंक एक लाख रुपया ताका रोखडेच जमा करचे पडटले. म्हणटकूच सगळें बेगीन जाग्यार पडटलें. वांगडाच ताका एक यादीय दिली. हे यादींत ताका फुडाराक लागपी जायत्या वस्तुंचीं नांवां आसलीं. ते यादी प्रमाण सगल्यो वस्तू ताणें विकत्यो घेतल्यो. राजेशाच्या बापायन जमीन विकून आनी राजेशाक दिवन उरिल्ले एक लाख रुपयाय सोंपयले. वचपा खातीर तीन सप्तकां फुडलो दीस थारायलो. आनीक धा जाण ताचे वांगडा वचपाचे आसले. सगळ्यांक घेवन जेकब सायब तांचो मॅनेजर म्हूण वांगडा वचपाचो आसलो म्हूण राजेशाचे घरचीं सामकीं हुसक्या मेकळीं जालीं.

पंचवीस तारकेक राती कडेन पयलीं थारायल्ल्या वेळा प्रमाण सगळे वचपी आनी तांकां निरोप दिवपाक तांचीं घरचीं विमानतळार एकठांय जालीं. सगळ्यांच्यो नदरो जेकब सायबाक सोदताल्यो. सगळे वचपी भुरगे ताची वाट पळेताले. परत परत भायर वचून येवपी गाडयां कडेन पळेताले. एअर इंडियाचें विमान सुटपाचो वेळ जायत आयलो पूण सगळ्यांच्यो तिकेटी, व्हिसा, पासपोर्ट जेकब सायबा कडेन आसले. ताचो मात पत्तोच नासलो. सगळ्यांक दुबाव मारपाक लागलो. जेकबाक वाटेर अपघात बी जालो ना मू? ताच्या घरा आनी ऑफिसांतूय फोन करून पळयलो पूण कांयच खबर लागली ना. एअरपोर्टचेर चौकशी केले उपरांत तांकां कळ्ळें की विमानान वचपी प्रवाशांचे वळेरेंत तांचें कोणाचेंच नांव नासलें.

तिडकल्ले भुरगे दुसऱ्या दिसा जेकबाक जाप विचारपाक म्हूण ताच्या ऑफिसांत गेले तेन्ना पळेत जाल्यार ऑफिसाक कुलूप आसलें. कंपनिच्या नांवाचो बोर्डय थंय नासलो. खूब धांवपळ केली पूण कांयच फायदो जालो ना. गजाल पुलिसे मेरेन पावली. पुलिसांनी सांगलें, हालिंच्या दिसांनी अशे तरेच्यो जायत्यो संस्था आनी कंपन्यो परदेसांत बरे जोडिची नोकरी दितां म्हूण सांगून लोकांक नाडटात...

फटवल्ले तरणाटे पुलिसेंत रिपोर्ट बरोवन भेरेल्ले तकलेन घरा गेले आनी नशिबाक खेपत रावले.

* * *

नंदालो पोर हो...

(दुसरी खिस्त)

सुमन्त केळेकार

पणजे-मडगांव मार्गा वयलो म्हाड्डोळ हो एक वसतेचो वाटार. तिल्या कडच्यान चाळीस-पन्नास पावलां, मंगेशीचे दिकेन, फाटल्यान सरत जाल्यार, उजवे वटेन एक इश्कोलाची, आयस पयस वारांद आशिल्ली घरा-वास्तू दिसतली. तिकाच धरून फुडें एक मळ, ताचे उपरान्त विठ्ठल म्हाल्याचें घर आनी थंयच तेंकून दोन-तीन किरिस्तांवांचीं घरां; दावे वटेन पळेशात जाल्यार पुराय सगळे जायां-मळे. जायां-मळे सोंपतात थंयच्यानच म्हाड्डोळचो बाजार सुरू जाता. दावे वटेन एक चाळी वरी पसऱ्यां खातीर बांदतात तसंली आळ दिसतली. पयल्या घरांत कुरै -- म्हळ्यार पोस्ट ऑफीस, मदल्या घरांत पुलीसेचें थाणें. ताचे मुखार मार्गाच्या दोनूय कडांनी तीन चार भुसारी मालाचे माण, एक ब्राह्मणी, सिगार-विडयांचे माणकुले दुसरे, एक फार्मास, एक म्हाल्याचो शाप, एकलो एकसुरो लुगटां-माण आनीं, मार्गाच्या दोनूय वटांनी हांगाथंय शिंपडिल्लीं आस्तापनां. ते भायर खोबरेल तेलांत तळिल्लीं हुनहुनीत भजीं आनी मिरसांगो विकपी, तुटक्या फुटक्या पत्र्या लाताचीं धांकणां घाल्लीं फोलिणांशीं दिसपी दोन-तीन च्याये-दुकानां, पुराय बाजाराक घमघमावन सोडटालीं.

आनीक एक खुबच म्हत्वाचें अशें सांगपाचें उरलें तें हांगच्या फुलां विशीं. वसचि बाराय म्हयने म्हाड्डोळा फुलांक तूट ना हें गोंयभर लोक जाणा. म्हाड्डोळच्या फुलांची सर खंयचेच कडच्या फुलांक येवची ना. हेरेकतरा फुलांच्यो फांतयो, वळेसर, पोड, हार-तुरे, गुरवारिच्या 'फुलां'क लागतात तीं 'मार्थीं' आनी हेर शिरंगार बी कोणाकय जाय आसत जाल्यार तीं मेळपाची सुवात म्हळ्यार एकलें एकसुरें म्हाड्डोळ. थंयचीं फुलकारां म्हळ्यार फुलांतलें सगळें कसब पारखुपी. तांच्या हाताकच फुलांचो नीज सुवास घमघमता म्हळ्यार जाता. म्हाड्डोळच्यो जायो जाल्यार गोंयभर नाम आशिल्ल्यो. जायो जायते कडेन मेळटात. पूण तांची खरी पारख आशिल्लो मनीस ह्या तोंका वयल्यान त्या तोंकार वचचें पडलें तरी परवडलें, म्हाड्डोळाच येतलो.

हे भायर एक दोन गुते आनी तितलींच तावेर्नां मार्गा वयल्यान येत्या वेत्याचे नदरेन पडले बगर रावचिंनात.

ह्या बाजारांत पयशांची चडशी उलाढाल जाता ती म्हाळशेच्या दर्शनाक येवपी म्हाजन आनी हेर भावीक हांचे हाजेरीक लागून. जात्रे वेळार जाल्यार हो पुराय वाटार सामको फुलून वता. खाज्याचे माण, पितुळवत, तामण, खेळण्यांचीं लॉजां, लुगटा-माण -- कितें आसा आनी कितें ना म्हण विचारपाची सोय ना. फुलकारांची जाल्यार ही गर्दी!

म्हाड्डोळा बाजारांत पाविल्लो मनीस पिरवोळा कशें वचपाचें म्हण कोणाकय विचारीत जाल्यार तो ताका म्हणटलो, ''हो बाजार जायनाफुडें तडक फुडें वचशी जाल्यार रोखडोच तुका एक पाटो लागतलो. पाट्याच्या दोनूय व्हटांनी शेतोड दिसतली. पाटो सोंपपाक तुका एक मशीद मेळटली. मशीद कसली? एक सुपुल्लें घर! त्या घरा मुखारच तुका जायतीं थडगीं दिसतलीं, ताचे वरसून वळखुपाचें. थंयच्यानच एक वाट सुरू जाता -- मातयेची. ते वाटेन चलत रावपाचें म्हणटकच तूं पिरवोळा पावतलो.''

मार्ग वोगीच म्हणपाचें ताका. पिरवोळा वचपी ती एक वाटच. दोन-अडेज वावां रुंदायेची. थोडीभोव येरादारी तीय मनशांची आनी गोरवांची. बारा मासें एक कामिन्यांव ना जाल्यार धाकटी मोटार वताली. गिमांत वाटेर धुल्ल दिसतालो तोय मनशांच्या पावलांचो. ना म्हणपाक एक दोन बैलां-गाडे पिरवोळच्या आसमंताक भोंवताले. शेता-लुंवणे वेळार, नाल्लां-पाड्या वेळार, सुपारेचे साक घेवन जावं पाडिल्ल्या आंब्यांची रास भरून. भाणस्तारी जावं फोणेच्या वयल्या बाजारांत, सांते दिसा केळ्यां-घडाय आनी हेर फळफळावळ व्हरपाचेंय काम हे गाडे करताले.

मशिदी कडच्यान फुडें वता आसतना वाटेच्या दोनूय व्हटांनी बांदांचेर माडांच्यो शिरी शिस्तीन हालताल्यो-धोलताल्यो. दोनूय कडांनी आशिल्ले शेतोडेक लागून भोंवतणचो वाटार उकतो पडिल्ल्यान वाऱ्याचो शिडकावो एका सारको चालूच आसतालो. थंयच्यान थोडें भोव चलतकच उजवे दिकेन दिसतालीं तीं फुलकारांलीं सुपुल्लीं घरां. नंगर वाड्याक थंयच्यान सुरवात जाताली. मागीर मेळटालें तें सांतेरीचें देवूळ. देवळा म्हऱ्यांत एक लांबलचक अगरसाळ आशिल्ली. हें सगळें उजव्यान जाल्यार दाव्यान एक बारिकशी वाट नदरेक पडटाली. ती वताली भटांले वसती कडेन. ह्या परिसरांत दोंगुल्ल्यांचेर एक दोन जायां मळे आशिल्ल्यान आशाढ-स्रावणांत जायांचो परमळ वाटे वयल्या आयिल्ल्या गेल्ल्याच्या नाकांत सामको झोमतालो. पुराय आसमंत जायांच्या उर्बेभरीत सुवासान आकंठ भरून वतालो. म्हणटां म्हणटां येताली कुसमळ्यांतली वसती. उजव्यान सकयल देंवन वतकच घरां लागतालीं जाल्यार येरादारिचे वाटेर दावे कुशीक एक वडारूख आनी म्हऱ्यांतूच आशिल्ली वोंवळ नदरे मुखार येताली. नदरेक पडपाचें खरें कारण आशिल्लें त्या झाडां मुळा घट रोमून दवरिल्ल्यो तांबड्यो गुंज घुड्यो. देंवचाराची सासाय आसता थंय असल्यो घुड्यो बी लायतात म्हणपाचें लोक सांगताले; ते भायर सकयले वसतींत एका घरांत घाडपण करपी घाडी खुदता आसतना जायत्या फावटी आयकूंक येतालें.

वोंवळां तेंपार, सकाळच्या पारार वाटे वयल्यान वता आसतना ही घे वोंवळांची रास वाटेर शिंपडिल्ली दिसताली, आनी तांच्या घमघमान मन भरून वतालें. आमच्या घरसून म्हाड्डोळा पावसर तीन चार कडेन असो हो वोंवळांचो शिंवोर पडिल्लो दिसतालोच.

कुसमळें ते केशवा-देवळाकडेन रावपी गजानन भट सावयकाराल्या घरा मेरेनची वाट, पळोवपाक गेल्यार व्हडलिशी न्हय; पूण कोणाचीच जागमूग नाशिल्लो तो वाटार. नवशिक्याक दनपारच्या पारार जावं तीनसांजचे कातरीर किण्ण करून उडोवपी. तरी शिंयां दिसांनी कसलो तरी ओडलायणो वास मनाक भुल्लुसायतालो. तो वास आसतालो सांतोणेच्या फुलांचो.

गिमा दिसांनी दोंगरा-कडांचेर किल्लल्ली दोंगरी बेलांची पालय ओलसाण नाशिल्ल्यान चरचरीत करपताली आनी ताचोय जिवाक सुखावपी असो एके तरेचो वास आसमंतांत पसवतालो.

मुखेल वाटे वयलीं दोन मोडणां सामकीं काटकोणांत आशिल्लीं. एक खंवट्या-पाळणींतलें आनी दुसरें जगमी कडलें. तांकांच लागून एकवेळ जावंये, आमोरेचेर जावं फांतोडेर वाजतल्या चवघुड्याच्या ताशाचे ठेके आनी सैनायेचे सूर कानार पडिल्ल्यान मन प्रसन्न जातालें. दिसतालें, हो चवघुडो म्हाळशे-देवळांतलो आसतलो. पूण न्हय; मंगेशीच्या चवघुड्याचे सूर कसलीच आडखळ नासतना बिनधास्त पिरवोळा पावताले आनी म्हाळशेचे सूर आमकां फंटोवन आडवाट्यां खंय पसार जाताले तेंच कळनासलें.

खंवट्यां पायण काडून रोखडेंच लागतालें तें उजवे दिकेन आशिल्लें खंवटे कुटुम्बाचें मूळ घर. चार-चवगांचें घर म्हणटकच तातूंत तिनूय त्रिकाळ बोवाळाचें साम्राज्य आसूंक फाव. पूण ह्या घराचें खाशेलेपण म्हळ्यार घरांत कोण आसा काय ना तेंच कळनासलें. घरांतल्या कोणाकय सोदूंक गेल्या मनशाक तडक चवखेचेर धडक मारची पडटाली. थंड वातावरणांत उबें आशिल्लें थंड कालेतिच्या मनशांचें हें घर!

खंवट्यांलें घर काडून फुडें वतकच एक व्हाळी लागता. गिमांत ती व्हाळी आसता खरी. पूण उटंग्या पावसांत तो जाता उदका झोत आशिल्लो लांबरूंद व्हाळ. भुरगेपणांत ह्या व्हाळाचेर बांदिल्ल्या साकवा वेल्यान आमी वताले. साकव खूब पूर्विल्लो, मोडूंक आयिल्लो पूण आशिल्लो. गरजेक पावतालो. पूण जाणटेले तेन्ना अशें सांगताले की पंचवीस-तीस वर्सां आदीं सांकव नाशिल्ल्यान लोक उदकांतल्यान येताले वताले. आनी भर पावसांतले एक दोन म्हयने पलतडी वचपाक जावं आलतडी येवपाक लोकाक कसलेंच साधन नासतालें. त्या वेळा वयलो तो पावसय तसलोच उटंगारांचो. चार चार दीस काडनासतना एका सारको लागून पडपी. ताच्या अच्छेवान लागसारचीं सगळीं शेतां-भाटां बुडून वतालीं.

हो साकव काडून फुडें लागता त्या मोडणाचे उजवे वटेन कुळागरांत एक जगम आशिल्ली. तिका जगमां लागतालीं ताका सुमार नासतालो. जगम एक पिकलें रे पिकलें तें काडपा खातीर आमची शाळे-भुरग्यांची घासाघीस चलताली. ताका लागून ते सुवातेकच ''जगमीकडेन'' हें नांव पडिल्लें. जगमी कडल्यान धा-बारा पावलां मारून वता म्हळ्यार आनीक एका आगळ्याच परमळान थपथपिल्ली सुवात मेळटाली. हो परमळ आशिल्लो सुरंगांचो. त्या मंद शृंगारीक वासान जीव सामको घुस्मटून वतालो. लागसारूच कुळागराचे धडे मुळांत दोन सुरंगेचीं झाडां कुचकुचीत फुलांच्या साजान नटिल्लीं. दोनूय तरणीं ताठ. फुलतालीं तीं अशीं तशीं न्हय – घे म्हण सुगंधाचो शिंवोर सोडटालीं. केन्ना केन्ना आमकां भुरग्यांक वासाची भुरळ पडून गरज नासतना आमी त्या फुलांचेर फातर शेंवटिताले. आनी भुंयेर पडिल्लीं फुलां बल्सांत घालून घरा व्हरताले. त्या फुलांचें मागीर कितें करताले तें विचारल्यार कोणूच आयज कांयच सांगूंक पावचोना.

सुरंगी कडच्यान फुडें वतकच कुळागराचे वयले वटेन कितल्योश्योच खोंपी दिसूंक लागताल्यो आनी आतां मात आमच्या घरा लागसार आमी पावले हाची जाणवीक जाताली.

आमचें घर म्हळ्यार एक शेकानशेक लांबरूंद वास्तू. येरादारिचे वाटेक बगलेक तेंकून आशिल्ल्यान ताची लांबायच पळोवन तें येत्यावेत्याचे नदरेक त्या काळार रोखडेंच भरतालें. चार चवगांचें घर. न सुटकेक घरचो कांय लोक हेर कडेन रावतालो. ना जाल्यार पुराय केळेकार कुटुंबाचें हें मूळ घर. घरच्यांची देवाकूड ह्या घरांत – आनी शाळीग्रामाची पुजा जाताली ती हांगचेच देवाकुडींत. ह्या घरांत पुजतात तो गणपती आनी मनयतात ती चवथ सगळ्यांची आसताली. मागीर तो ते चवथेक देवाक पांयां पडूंक येवं वा येवं नाका. चौपेटिचें घर. चार चौख. गांवांतलीं सारस्वतांलीं घरां सगळीं चौपेटिचींच खरीं; आकारानूय तांच्यो चौपेटी मोट्यो आसतीत एक वेळ पूण आमच्या घरांत पावतले धांतले णव जाण तरी ''काय बऱ्यो घसघशीत ह्यो चौख्यो'' अशें म्हळे बगर वचचे नात. आंवाठान आयसपयस. आनी आंगणूय लांबरूंद बरें. दोनशें अडेजशें वरसां पयलिंचें हें घर आसुंये. घराचे फुडले वटेन, घराच्या मुखेल दोन वणटींक जोडून एक दुरीग आशिल्लें. ह्या दुरगा भितर तिनूय व्हटांनी कांय बांदकामां आशिल्लीं. दावे [illegible]न एक माळयेचें लॉज दुरगाचे वणटीक तेंकुनूच आशिल्लें. त्या लॉजाक एक पडवी आशिल्ली. मीर्गाचेर ह्या लॉजा मुखार वंय घालून थंय घोसाळीं, दुदी, कुंवाळे, तवशीं, भेंडे बी फळभाजयेचीं बियां रोयताले. आनी पावसाळ्याच्या दोन म्हयन्यांत थंय घे म्हण भाजी पिकताली. भितर घाल्ल्या माटवाचेर घोसाळीं-तवशीं जाल्यार पडवेच्या पाख्यार दुदी आनी कुंवाळे हांची रास लोंबकळटाली. माळयेचें लॉज सदांच धांपिल्लें आसतालें. तातूंत मोडकें किडूक मिडूक सामान सोडून दुसरें कांयच दवरिनासले. ताका लागून तें उगडुपाची संदूच येनासली. ना म्हणपाक भितर उडटालीं त्या वागळांचो आवाज मात मर्दी मर्दी येत आसतालो. पाखाट्यांचो आनी तोंडांतलो. ताका लागून लॉजांत मज म्हण वचपाचें धाडस जायनासलें.

भितर सरनाफुडें उजव्यान एक पाख्याचो मांगोर आशिल्लो. थंय घरांतल्या कोणा एका कुटुंबाचीं गोरवां बांदतालीं आसूंक जाय. हांवें थंय गोरवां आशिल्लीं केन्ना पळेल्ल्याची म्हाका याद जायना. उजवे वटेन मात दोन बसक्यो एका एका साला वरी कुडी आशिल्ल्यो. त्योय वर्सांतल्यान धा म्हयने धांपिल्ल्यो आसताल्यो. तांचे धनीय चडसो काळ भायर आशिल्ल्यान त्या कुडिंच्या नशिबांत काळखाचे पुजे भायर दुसरो कसलोच व्याप नाशिल्लो. ह्या घराचो पयलो दरवट म्हळ्यार त्या दुरगाचें दार. तो धांपिल्लो असं उरनासलो. येरादारिच्या मार्गा वयल्यान सकयल येवपाक एक चिऱ्यांची पाज्ज आशिल्ली. ते पाज्जेच्या सपणांचे चिरे मर्दी मर्दी निखळिल्ले. हाचे वरसून तींय जायतीं वरसां आदीं बांदिल्ली म्हणपाचें पारखूं येतालें. पाज्जे सकल देंवलो की ना दुरगाचे मधेकाक आशिल्ल्या दारा कडेन पावतालो. हें दार रातिचें तितलें खिळी लावन धांपताले. दीसभर उकतें आशिल्ल्यान घरांत कामा खातीर येवपी कोणाकूच ताची कटकट नासताली. हें दार उकतें करपाचें आनी पोरसां मर्दी आशिल्ले वाटेन तडक घराच्या बल्कांवाचेर येवन बसकण मारपाची.

हें मुखेल दर्शनी दार म्हळ्यार एक अगडबंब दरवट. चार पांच इंच दाटायेच्या ह्या पणशी दाराचेर लोखणी पत्रो बसयल्लो. आनी ह्या दाराचीं दोनूय कवडां वांत्याचेर हालतालीं. वांत्याची राखण दारा कडचो हुमरो करतालो. अशे तरेन बंदोबस्त करपा फाटलें कारण म्हळ्यार तो राण्यांच्या बंडाचो काळ आशिल्लो. युकणीसाव्या शतमानाच्या निमाण्या दसकांत वचत थंय कोण घर-भाट आशिल्लें कुटुम्ब दिसलें आनी तांच्या घरांत लग्नकार्य बी आसा म्हण कळ्ळें जाल्यार, तांगेर राण्यांची घुरी पडटाली. ते राती-अपराती येताले आनी दारार मारताले. दार काडलें ना जाल्यार तें कुराडीन फोडटाले. हे कुराडिच्या भंयान दारांचेर लोखणी पत्रो चडिल्लो तो अजुनूय तशातसो आसा. आमच्या घराच्या इतिहासांत ह्या राण्यांच्या बंडान केल्ल्या जाचाचें एक प्रकरण आमी आयकल्लें. आमच्या जल्मा पयलिंची ती घडणूक. आमच्या घरांत खंय कोण व्हंकलेकाराचें लग्नाबिराड आयिल्लें. ही खबर राण्यांच्या कानार पावली. ते आर्मा, कोयते बी घेवन आमच्या घरा कडेन आयले. तांच्या मुखेल्यान दारार मारलें आनी घरांत आशिल्ल्या रायुदादान दार काडलें. जाल्यार ह्या राण्याल्या मनशान ताका बरे भशेन नियाळ्ळो आनी विचारलें, ''ह्या घराचो धनी कोण?'' ''हांव'' म्हण रायुदादान जाप दिली. ''तुवें आमकां आतांचे आतां एक हजार रुपये दिवचे पडटले. ना जाल्यार आमी तुकाच घेवन वतले.'' रायुदादाचेर आकांत आयलो. ते भायर घरांत व्हंकलकाराचें बिराड आनीक आसा! पयशे दिवपाची वेवस्ता जायनाशें पळोवन निमाणें त्या राण्यांच्या मनशांनी रायुदादाक उबारून व्हेलो. एक दोन दिसांनी पयशे तांकां पावयले तेन्नाच रायुदादाची सुटका जाली. अशे तरेन चलतालें त्या वेळार राण्यांचें बंड. सत्तरेच्या दादा राण्याचो राग पुतुगीज सरकारा आड आशिल्लो. हे परके सत्त्येन ताका खुबच दुखयल्लो. पूण दादा राण्याच्या नांवार दुसऱ्याच लोकांनी अशे तरेन खंडणी वसूल करपाचो वेवसाय चलयल्लो. अशेंय म्हणटात की खासा दादा राण्याल्या साथीदारांचीं नांवां पुतुगीज सरकाराक सांगून तांकां धरून दिवपाच्या कामांत सरकाराक ते आधार करताले. असलीं हरामीचीं कामां करून लोकांक लुबाडपाचें काम करपी नकली राणेय समाजांतली स्वस्ततय ना करताले म्हळ्यार तातूंत अजाप करपाचें कांयच-

कारण ना. ह्या देशाच्या अदृश्टांत असले काळेकिट्ट कालखंड जायते आयिल्ले आसात.

हो पत्रो मारिल्लो फुडलो दरवट धांपताले तो एक लोखणी काम आडवी आसोवन. ते भायर दोन तीन आडामे घालून. एक एक आडामो म्हळ्यार गाटयेच्या आकाराचो आनी तोय माट्टिच्या लाकडाचो. दरवट काडिनाफुडें लेखडेंच आनीक एक दार लागतालें. ताचे उजव्यान एक लोखणी 'बेबो' लांबतालो. तो दाराचेर मारिल्ल्यान आवाज येतालो. तो आयकून भितर चौखेर जावं दुसरे कडेन लागसार आशिल्ल्यांक कोण तरी भायर आयला म्हणपाचें कळटालें आनी तो जावं ती येवन दार काडटालीं.

ह्या घराची काणी भोवच मजेशीर आसा. हें घर कितें आयचे वरी प्लॅन बी काडून एका धपक्यांत बांदूंक नाशिल्लें. आयचे वरी घर बांदपाचे नेम त्या वेळार कसलेच नाशिल्ले. घर बांदपाक कोणाय भाटकारा लागीं जागो मागल्यार मागतल्याक 'ना' म्हणपाची रीतच नाशिल्ली. मागता बोटभर जाल्यार मेळटा वांवभर ही तरा. घर बांदतल्याक आनीक जागो दिवप ना म्हळ्यार व्हडलें पातक जाल्ले वरी. वसतल्याक वसूंक दिवप ही भावना. हें अशें गोंयभर चलतालें.

हे परिस्थितींत एक बायल खंय मंडूरच्यान आपणाल्या दोगां पुतांक वांगडा घेवन पिरवोळा आयली. तिचो घोव भायर पडिल्लो. ती सारस्वतांच्याच घरांतली पूण तिचें घरांत पटना जाल्ल्यान जावंये, घरांतल्यांचें मन मोडून तें घर सासणाचें सोडून ती हांगा रावंक आयिल्ली. हे घटनेक कितलीं वर्सां जालीं तें सांगप कठीण. येतना तिच्या पदराक बरीच गांठ आसुंये. येनाफुडें सगळ्यांत पयलीं तिणें खंय पिरवोळचो हो जागो पळेलो आनी सगळे सोपस्कार करून थंय दोन कुडी बांदून घेतल्यो. तिच्या दोग भुरग्यां भितर एकलो खूब कश्ट करपी आनी तकलेनय तल्लख आशिल्लो. दुसरो मात तितलोसो हुशार नाशिल्लो. पूण जोड करतना भावाक ताचो खुबूच आधार जातालो. आवयलागीं दुडू आशिल्लो. तें भांडवल घेवन केळ्यांचो वेपार करपाक तांणी सुरवात केली. अंत्रुजेक दोन तीन कडेन सांते-बाजार भरताले. थंयचीं केळीं राशी दरान विकतीं घेवप आनी किरकोळ दरान विकप – हाचेर लाव मेळटालो तो असो तसो न्हय. वर्सा दोन वर्सां भितर तांचें बरे तरेन बस्तान बसलें. 'केळेकार, केळेकार' म्हूण वचत थंय तांकां वळखूंक लागले. केळेकाराची पयशेकार म्हण नामना जावपाक कळाव लागलो ना. पयशेकार म्हळो की ताचे कडेन गरजेवन्तांचीं कामां सर्वकाळ आसपाचीं. तांचे कडल्यान कळंतरान दुडू व्हरतल्यांचो आंकडो वाडत रावलो. कळंतर जेन्ना कर्जान काडिल्ल्या दुडवां परस अदीक जाता तेन्ना घाण दवरिल्ली वस्त जावं घर जावं भूंय ही पयशेकाराल्या पोटांत गेलीच म्हण समजुचें. अशे तरेन मूळ पयशेकार आशिल्लें हें तिगां मनशांचें कुटुंब, भाटकार जावपाक कळाव लागलोना.

गिरेस्तकाय वाडिल्ल्यान संवसारूय वाडटा. दोन कुडिंच्या घराक जोडून आनीक कुडी येतात. मनशां वाडूंक लागतात तेन्ना पयलीं आशिल्लें घर ल्हान पडूंक लागता. आमच्या घराची वाड अशेच तरेन जाली जावंक जाय. सुरवेक बांदिल्ल्यो त्यो ल्हानशो काळखा-कुडी पुरायेन मातयेच्यो आसात जाल्यार उपरान्तचीं कांय बांदकामां फातर, चुनो आनी माती हीं तिनूय कालोवन त्या मिस्रणाचीं केल्यांत म्हणपाचें दिसता. पुरत्यांत मुखा वयल्यो दोन वणटी चौख्यो आसात पूण त्योय रुंदायेन एका सारक्यो नात. एकाच वेळार त्यो बांदूंक नात हें हाचेवरसून म्हणचें पडटा. आज दिसता त्या घराचें बांदकाम करता सवरता सर उण्यांत उणीं शंबरेक वर्सां तरी लागिल्लीं आसूंक जाय.

पयल्यो दोन कुडी बांदिल्ल्यो तांचे लागसारूच देवा-कूड आसा. आनी देवा-कुडिच्या दाव्यान, मातशी फाटले वटेन एक बांय आसा. म्हज्या भुरगेपणांत तिका देवाची बांय म्हणटाले हाची म्हाका घट याद आसा. ते बांयचें उदक देवकार्या खातीर आनी घरच्या खाणा जेवणाक वापरताले. ती बांय एक तर कसलेंच सावट नाशिल्ल्या जाग्यार, उकते सुवातेर आशिल्ली. पूण तिची बांदणी पळेल्यार तळा वयर पांच-स फूट ती पळोवपाक फोणारो कशी दिसता. सुरवातेकूच मारिल्ली ती बांय आसली अशें म्हणपाक हरकत ना. उपरान्त ते बांयच्या तीन कडांनी वासऱ्यो आयिल्ल्यान जण एका वासरेकारान आपले व्हटेंतली धड चिऱ्यांनी बांदून घेतली जावंक जाय. दुसरी बांय घरांतलें रासवळ मात्रें आसा थंय मारिल्ली आसा. ती बांय खूब वर्सां उपरान्त बांदलीशी दिसता. ती चिऱ्यांनी बांदिल्ली वाटकुळ्या आकाराची आसा. तिचें उदक वापरताले तें न्हाणा-धुण्या खातीर. तिचे वयल्यान घराचें पाखें आयिल्ल्यान तिका उजवाडाचें दर्शन घडनासलें. आनी देखून तिचें उदक खावपा-जेवपा कामाक बरें न्हय अशेंच घरचे लोक मानताले. हे बांयक 'मान्न्याकडची बांय' अशेंच सगळे जाण म्हणत आयल्यात. हे बांयक धरुनच शेकानशेक रासवळ मात्रें आसा. पयलीं थंय जण एका कुटुंबाची हांड्या-रान्न आसताली आनी रात्री वयल्या हांड्यांनी सकाळच्या पारार उदक तापतालें. लाकडाचे मोटे मोटे होंडके रात्रींनी पेटत आसताले. आनी थंय धुंवर कोंडटालो. तो मेळटा ते वाटेन भायर सरून घरभर पसवतालो; तेच परी पाख्यांतल्यान भायर सरिल्ल्यान पाख्या वयर धुंवरेल्लो वाटार जातालो. वाटे वयल्यान येत्या वेत्याक तें पळोवपाची संवय जाल्ली. कोणूय नवसुको आसल्यार घरांत उजो बी लागलोना मू अशें येवजून ताणें भियेवन वचचें, असो तो देखाव आसतालो. हें इतलें सांगपाचें कारण हेंच की आमचें घर म्हळ्यार कसलीच आंखणी करिनासतना बांदिल्लो एक मठ म्हळ्यार जाता. दोंगराच्या आडोसाक आशिल्ल्या मान्न्याक लागून थंयच्या रात्रींतल्या धुंवरा-लोटांक पयस व्हरूंक ते दिकेन वारो व्हांवनासलो. तेच भशेन मान्न्यांतलें म्हेळें रेब्या-उदक कुळागरा व्हटेन पावोवपाची वेवस्ताय घराचे जमनी पोंदच्यान तूम बांदून ते भाशेन केल्ली. पावशे दीस सोडल्यार हेर दिसांनी त्या तुमा तोंडा कडच्यान रेब्याचे घाणिचो वास सगळे कडेन पसवतालो आनी त्या नश्ट्या वासान नाका जीव जातालो.

मूळ कुडिंचे लागसार एक लांबची लांब वासरी आसा. ते वासरेंत जेवणावळिचें अन्न रांदपी रांदताले. ते भायर देवा कुडी फाटल्यान तितलेच लांबाय-रुंदायेची दुसरी एक वासरी आसा. थंय तेन्ना एक दोन रान्नी घाल्ल्यो आसताल्यो. पूण त्यो गरज पडटा तेन्ना कोणाक लागल्यो जाल्यार वापरूंक. त्या वेळार आमच्या घरांत स्राद्धां, समरादन्यो, म्हाळ हांच्यो जेवणावळी वर्सभरूय आसताल्यो. ते भायर लग्नकार्यां, मुजी बी हांच्योय जेवणावळी. ताका लागून चारूय चौख्यो आनी वासऱ्यो बेकार म्हण उरनासल्यो. समरादन्यांक तर गांवभर सगळ्यांक आफोवणो आसतालो. ते भायर सोयरे-धायरे आनी पुरत्यांत भागेल्यांक हीं जेवणां कशींच चुकयनासले. समरादन्यां भितर म्हजे यादींत घट्ट बशिल्ली ती म्हळ्यार आंब्यांची समरादृना. आमच्या भाटांनी आंबो खूब पिकतालो. पतिपतिंचो. कांय कडचो पाडले उपरान्त बैला गाड्यांनी भरून हाडचो पडटालो. ते आंबे गांवच्या लोकांच्या तोंडांत पडचे हे खातीर ही समरादना. जितले चड पतिंचे आंबे पानार पडटात तितली गडगंज समरादना हें वाडटल्यांचें आनी जेवतल्यांचें कोश्टक. मानकुराद, माल्देस, शावेर, कुलास, साश्टी मुसराद, फेर्नांदीन आनी जमलें जाल्यार आनीक एक दोन तरा. जेवणांत एक दोन फावटी आफोंस आनी बाबगो नांवाच्या सोणणां आशिल्ल्या नाल्ला येङ्या आंब्यांच्यो एक-दोन शिरोय वाडिल्ल्याची म्हाका घट्ट याद आँसा. घमघमीत वासाच्या ह्या आंब्याची एक शीर लेगीत खावंक जड जाताली. आनी हे सगळे आंबे जेवतल्याक आग्रो करून जाय तितले वाडटाले. तो काळच कितें वेगळो आसलो!

घराच्या फुडल्या बल्कांवा कडच्यान भितर सरनाफुडें जी चौखी लागता ते चौखेच्या दोनूय व्हटांनी दोन कुडी आसात आनी तेच चौखेच्या दोनूय

तोंकां कडल्यान माळयांचेर वचपा खातीर दोन इस्कादी आशिल्ल्यो. हांतली एक इस्काद आशिल्ली 'सरकारी' माळयेर वचपाची. सरकारी म्हळ्यार रासवळ. जेवणावळिंचें अन्न शिजयताले त्यो दोन वांसऱ्यो, चार चौपेटी आनी मान्नें हींय त्या अर्थान 'सरकारी' आशिल्लीं. हे चौखे वयल्या त्या दोन कुडिंचें खाशेलेपण म्हळ्यार घरांत कोणाचेंय बाळंतपण आसलें जाल्यार तें हांचे भितरले एके कुडींत जातालें. बाळंतीण एक फावट थंयची भायर सरली की मागीर परते थंय सदांचे लोक आपणाले वसतेक येताले.

चारूय चौख्यांवयर ज्यो माळयो उबारिल्ल्यो त्यो चौखेर बसयल्ल्या लाकडी खांब्यांचो आधार घेवन. हे खांबे तयार करतना मेस्तान थोडीभोव कला कुसरूय तांचेर केल्ली. त्या वेळार लाकडाक व्हडलेशें वाल नासलें. एका एका झाडाचें मुळा कडचें कांड घेवन तांचे हे खांबे केल्ले. माळयां खातीर घाल्ल्यो व्हडल्यो व्हडल्यो पाटयो एके वटेन वणटिचो जाल्यार दुसरे वटेन ह्या लाकडी खांब्यांचो आधार घेवन बसयल्ल्यो.

इतल्यां भितर म्हाका परती परती याद जाता ती घरांत भितर सरतना लागता ते पयलेच चौखेर आशिल्ल्या दोन बांकांची. हे बांक चौखे व्हटेन तोंडां करून दोन दोन खांब्यांक घट बसयल्ले. ह्या बांकांक लाकडा-फळयांच्यो फाटी आशिल्ल्यो. ह्यो फाटी मनमेकळेपणान वणखून बसपा खातीर आनी न्हिदिल्ले कडेन कोणूय लोळून बी आंगणांत पडचो न्हय हे खातीर बसयल्ल्यो. ह्या बांकांनी भुरगेपणांतल्यो म्हज्यो आनी म्हजे सारक्या हेरांच्यो जायत्यो व्यथा आयकल्ल्यो आसतल्यो. ह्या बांकांचेर बसून आमी टोळभैरव कितले हांसल्यात, कितले नाचल्यात तें सांगप म्हा-कठीण. आमच्यो चौख्यो म्हळ्यार आमचे हे दोन बांक. ह्या बांकांचेर बसून मारिल्ल्या चकाटांक एके तरेचो सुवाद येतालो. कार्तिक पाडव्याचो धेणलो मखरांत बसून येतालो तेन्ना बांकार बशिल्ले कडेन म्हजे सारक्याच्या दोळ्यां मुखार कृष्ण कन्हैयाचें गोकूळ उबें रावतालें आनी शिगम्या मळांतले खेळगडी गडगडाटान येवन आंगणांतल्या तुळशीवृंदावनाक भोंवताडो घालून जेन्ना गाताले, नाचताले, तालगडी मारताले तेन्ना तें पळोवन आनी आयकून बांकांचेर बशिल्ले कडेन सांवार आयिल्ले वरी आमची आवतिकाय जाताली.

उरिल्ल्या दोनूय चौख्यांचेर कांय कुडिंचीं आनी दोन वासऱ्यांचीं दारां दिश्टी पडटात. फुडें फुडें घरांतलीं मनशां वाडत गेल्यांत तश्यो वासरेचे वयर आनी मान्न्याचे वयरूय कांय माळयो वयर सरिल्ल्यो दिसतात. त्योय मागीरच्या काळांत धांपून उरिल्ल्यान, आसून नासून सारक्यो अशी तांची परिस्थिती जाली. अशे तरेन दर एका कुटुंबाचो असो घरांतलो रावपाचो जागो, मागीर तें एक साल आसूं, एक कूड वा एक माळी आसूं, ना जाल्यार एक रांदची कूड – थरिल्लो आशिल्लो. तें भायर परक्यां खातीर जावं सोयऱ्यां खातीर ''सरकारी माळी'' ही न्हिदपा-उठपा खातीर वापरताले. लोकांची गर्दी जालीच जाल्यार कसल्याय कामाक उपकरा पडटाल्यो त्यो चार चौख्यो. एक शेंदरी, एक उशें आनी एक गोजडी दिली की तो थार पडटालो तो बद्द फांतोडेर दोळे उकते करतालो. मेणवात लावन वा दिवलेच्या उजवाडांत रात सारप म्हळ्यार ती म्हा-तपश्चर्याच जाताली. भरिल्ल्या घरांत चौख्यांचे गूण गायता तितले थोडे. माणकुल्या भुरग्यांचें जाल्यार तें नंदनवन. दिमखुऱ्यांनी चलपी भुरग्यां पासून ''चाल चाल'' म्हणून पावली मारपी भुरग्यां मेरेन सगळ्यांक चौखे सारकी दुसरी सुवात सोदून मेळची ना. पातळायली एक शेंदरी, दवरलो एक पोळेर आनी घालें ताचेर त्या भुरग्याक – चौखेर बशिल्ले जाणटेलेक सांगलें, ''नदर आसूं दी आं गनिआका बाबूचेर!'' आनी गेली आवय दनपारचें रांदूंक. कितली सोपी आनी सुटसुटीत ही गजाल! माणकुल्या भुरग्याक चलपाचे, धांवपाचे, उडक्यो मारपाचे, तरांतरांच्या कसरतींचे पयले पाठ हे चौखेचेरूच मेळपाचे. मातयेच्यो, शेणान सारयल्ल्यो ह्यो चौख्यो. असो खंय पडलो, आपटलो जाल्यार ताका कांयच जावपाचें ना. नवी नवलाय आसता तेन्ना भंयान एक किळंच मारता तितलीच. फुडें फुडें कितलोय आपटलो तरी 'हूं ना चूं ना' इतली तयारी.

ह्या आमच्या घराक फुडलें दार आसा तशेंच मागिलदारूय आसा. मागिलदारा वतलो जाल्यार पाज्जेन देंवपाचें आनी आंगणांतल्यान बल्कांवाचे येवन, दारार खटखटावपाचें. घराच्या फुडल्या दाराचें तोंड एके दिकेक जाल्यार फाटलें दार उरफाटे दिकेक. फुडले व्हटेन जाता तितलें सगळें बांदून जाले उपरांतूच मागीर मागिलदाराच्या ह्या कामाक हात घाला अश्शें पळेल्ले वरसून दिसता. मूळ घराचे फाटले व्हटेनचो हो वांटो पोन्न्या घराचोच कुडको अशें दिसना. मूळ घराक जोडूनच बांदिल्लो हो नव वाटार म्हणपाचें पळेनाफुडें रोखडेंच सांगूं येता. मूळ घराचे रुंदायेची पू लांबायेन आंखूड अशी एक वासरी, एक साल, दोन कुडी आनी शेकानशें पसरिल्ली एक माळी. आनी मुखावयल्या दरवट्या भायर एक ल्हानशें बल्कांव. घरा मुखार एक आंगण, दुरीग बिरीग भोंवतणी कांयच ना. माग वयल्यान सकयल देंवपाक चिऱ्यांनी बांदिल्ली एक नवी पाज्ज. मूळ पाज्ज घरा मुखारच आशिल्ली पूण आतां ती दशेंतली उरूंक नाशिल्ली वालिच्या झोंपांक लागून ती अर्दीमर्दी लिपिल्ली. पूण आंगणाक तेंकून त्या निमाण्या दोन सपणां लागसारच तांबड्या चाफ्याचें एक झाड आशिल्लें म्हणपाचें म्हाका विसरूंक येवपाचें ना. त्या झाडाचेर चडप, ताचो खांद्या खांदो भोंवून मागीर सकयल देंवप हें म्हजे सारक्या सातेक वर्सांच्या भुरग्या इतलें संवयेचेर पडिल्लें की ताचें कोणेंय अजापच करपाचें!

आज खंयच्याय घरांत रावपाचें आसत जाल्यार पयलीं चवकशी करता ती न्हाणयेघराची आनी संडासाची (Bathroom आनी toilet). ती सो नासत जाल्यार त्या घरांत कोणूच रावंक वचनात. तो काळ वेगळो आशिल्लो आमच्या घरांत न्हावपा खातीर मान्नें आशिल्लें. एकाच मान्न्यांत घरांतल पुराय कुटुंबां न्हाणां करतालीं. दारां लावन बंदिस्त न्हाणां घेवपाची सो नाशिल्ली. पळोवंक गेल्यार सगळेंच उकत्यार. पूण चारचवगांच्या घरां कांय नेम आसतात. ते पाळपाची वज सगळ्यां मर्दी आशिल्ली. बायलां न्हावपाचो वेळ थारायल्लो आसतालो आनी त्या वेळार कोणूच दाद मान्न्यांत फिरकनासलो. तीच गजाल परसाकडेची. त्या काळांत गांवगि वाटारांतल्या घरांत संडासाची वेवस्ता कोणागेरूच नासताली. त्या कामा घरा सकयल आशिल्ल्या व्हाळार ना जाल्यार उदकाचें फोलीण जावं तांब घेवन दोंगरार वा घरा लागसारच्या आतोडांत वतालीं. पूण थंयूय कां नेम थरिल्ले आसताले. व्हाळार वता जाल्यार बायलां खातीर एक सुवा आनी दादल्यां खातीर दुसरी हे तरेन थारावणी करून ती घरांतल्या सगळ्यां कळीत केल्ली आसताली. आमच्या घरांत हें अश्शें शेंकड्यांनी वर्सां मे चलत आयिल्लें. नेमांक पाळो दिवन जिविताक फाव ते तरेचें वळण लायल्य कसलीच अडचण निर्माण जावंक पावना ही देख भुरगेपणांत सावन आमच आंगवळणी पडिल्ली.

मागीलदारा मुखार अश्या तश्या पंद्रा वांवांचेर कुळागरा देगेर एक मा आशिल्लें लॉज आसा. मूळ घरांत कोणूय तरी भायर पडला आनी न वायट लागिल्ल्यान कांय म्हयने राक्ता तें घर सोडलां हाची म्हाका य जाता. घरांतलीं हेर कुटुंबां गांवांतच जावं गांवाभायर हेर घरांनी थोड तेंपा खातीर रावंक गेल्यांत आनी आमी ह्या लॉजांत रावंक लागल्यां हें लॉज म्हळ्यार दुसरें एक घरूच; रांदची कूड, जेवणा वासरी, भि सरयाक उजव्यान एक कूड, दाव्यान दोन माळयांचेर वचपाची लाक इस्काद आनी मुखावयली पडवी. आमच्या कुटुंबाक तें घर उणें पडनाशि ते भायर ह्या लॉजांत कितें हय आनी कितें ना म्हणपाचें ना. नाल्ला पाडो जालो रे जालो, लॉजांत नाल्ल पावलेच. साकोड्डेच्या ठिकाणांत बैलां-गाडयो भरून सुपारी आयली जाल्यार ती लॉजांत भरपाची. आका आनी हेर ठिकाणांतले आंबे पाडले जाल्यार ते माळयेर पिकत घालप

सद कामाचीं न्हय असलीं घरांतलीं मोटीं मोटीं आयदनां – थालयो, कायली, झारे, दवले, भोगुणीं, भाणां आनी किटुकमिटूक हेर आयदनां ...ालीं तीं ह्या लॉजांत. इतलेंच न्हय तर ह्या लॉजाचे पडवेर सटी ...ल्लीय हांवें पळेल्या आनी आयकल्या. म्हज्या मांवडां भितर विठोबा ...व जल्मला आनी ताची सटी इतल्या गडगडाटान मनयल्या की ...ा विसरुपाचें न्हय. फेणयेच्या नेटार आनी घुमटांच्या तालार सटी ...पाची चाल तेन्ना आशिल्ली. चल्याची सटी म्हळी जाल्यार मागीर ...क विचारूंक नाका! आख्खी रात वाड्याक जागरण!

लॉज आनी ताचे कुशीक आशिल्लें मार्गा सकयलें आतोड हांचे ...दान एक तीन चार हात रुंदायेची वाट वताली ती गोरवांच्या गोठ्या ... त्या वेळार आमगेर कितेंच ना म्हळ्यार गोरवांचो पंदरा वीस नग ...ल्लो. तातूंत गायो आनी पाड्यांचो आंकडो चड. ना म्हणपाक एक ...म्हशी आनी रेडकां आशिल्लीं. आमी घरचेंच दूद खातालीं. म्हाका ...य केन्ना केन्ना रूच येता ती त्या वेळच्या च्याची. आमच्या गोरवांचें ...आमचो बापूय काडटालो. तें धारेवयलें फेणेर आशिल्लें हरवेंच दूद ... केल्ली च्या म्हळ्यार तोंडांतली काडची न्हय असली आसताली.

...ठ्या मुखार इल्लें फुडें दोन खोपी आशिल्ल्यो. एक बस्त्यांवाली ... दुसरे झिंगावैली. तांचें दोगांयचें आंगण एक आसलें. घरभाटाचे सकयल ...ल्ले कुळागराचे चार दांडे बस्त्यांवा कडेन आशिल्ले जाल्यार झिंगू ...ारूच आशिल्ल्या दुसऱ्या एका कुळागराचो भागेली आशिल्लो. ह्या ... आंगण म्हळ्यार आमची खेळपाची सुवात. घरांतल्यान आवयन ...ल्या उल्याक ''ओ'' म्हूण म्हजी जाप वताली ती चड करून ह्याच ...गांतल्यान.

...ॉजा लागसारच्या आतोडांत एक पणसाचें झाड आशिल्लें. आनी ताच्या ... एक आंब्याचें. हो पणस म्हळ्यार आमच्या जिवाभावाचो रूख. ... ताका तेंकुनूच आशिल्ल्यान पणसार चडूंक सोपें जातालें. ह्या पणसाक ...णस जाताले ताका कोंत आनी हिशोब ना. आंबोय चंवरतालो आनी ... आंबेय मेळटाले. पूण पणसाची ओड कितें वेगळीच आसली. पयलीं ...गां, उपरान्त कुंवले आनी मागीर पणसूल हांचो आकार वाडत आसा ...सर एक दीस बल्कांवार बशिल्ले कडेन घमघम येवंक लागतालो आनी ...कां जाग येताली. दाभणाचो पणस जालो तरी केन्ना हाचें कुवाडेंच ...नासलें. पिकूंक आयिल्ल्या जावं पिकिल्ल्या फळाक पणस म्हळो तरी ...रान तें पणसूलच आशिल्लें. एक फावट पणसुलां पिकूंक लागलीं ... पिकतच रावतालीं. आयज एक पिकलें जाल्यार पयऱ्यान दुसरें, चार ...ांनी तिसरें म्हणटासर आठ दीस कसलीच जागमूग ना. धाव्या दिसा ...ल्लो वाटारच घमघमूं लागलो म्हूण झाडाचेर चडून पिकिल्लीं पणसुलां सोदत जाल्यार चारपांच मेळटालीं. तशें पळेल्यार पिकिल्लें पणसूल ताच्या वासानूच पारखुपाचें. पूण तीं घोसांनी जाल्ल्यान खंयचें पिकलां आनी खंयचें ना तें चिरपुटां मारले बगर कळनासलें. करतां करतां पयलो फोव सोंपतालो आनी दुसरो सुरू जातालो. दुसरो सोंपतां सोंपतां मागूस आशिल्लीं पणसुलां पिकूंक लागतालीं आनी ते मेरेन मीर्गाचो गडगड सुरू जातालो. त्या पणसाची आनी पुरत्यांत म्हजी येदी संवकळ जाल्ली की त्या रुखाचो खांद्यान खांदो म्हजे वळखिचो जाल्लो. दोन तीन म्हयने सोंपसर पणसुलांचें पिकप थांबनासलें आनी झाडार चडले बगर पणसूल सकयल येनासलें. कोणूय ना कोण एक साक घेवन आधाराक येतालो आनी वयल्यान उडयल्लें पणसूल अचळय साकांत जिखतालो. पिकून अरळ जाल्लें पणसूल फोडप तरी कशें? उबें दवरून ताच्या पोटांतली माव तशातशी वयर काडप, आनी पणसुलाचे दोन कुडके करप. ह्या वेळार भीमान जरासंदाक दिल्ले ख्यास्तिची म्हाका याद जाताली. मागीर तांतले घरे काडून खावपाक सुरवात करपाची. पणसुलांतले घरे खऱ्यांनीच रुचीक आनी गोड आसताले. पूण तातूंत घरे मेळटाले ते कितले? चडांत चड वीस पंचवीस. एकेच घटकेक दोन तीन पणसुलां खावंक एकलोच पुरो.

आंगणांत आशिल्ल्या आनीक एका झाडाचो मुजरत उल्लेख केले बगर म्हज्यान रावंक जावचें ना. नवी पाज्ज आसा तिच्या निमाण्या सपणाच्या दाव्या कोनश्याक एक सुरूचें झाड आशिल्लें ताचो. भायर रखरखीत वोत पडलां आनी आंग हुनसाणीन भगभगता अश्या वेळार अचकीत आयिल्ल्या वाऱ्याचे मंद झुळकेन लेगीत सुरूचीं सुयां वरी पानां सूऽ सूऽऽ असो आवाज करीत तळमळपी जिवाक थाकाय दितालीं. त्याच सुरूच्या झाडाक म्हज्या बापायन गोठ्यांतलें दावें हाडून म्हाका ''वसू जाला पोर'' म्हूण बांदून घाल्लो. म्हज्या मस्तेपणाक लागून कोणूय ना कोण येवन बापायलागीं म्हजीं गाराणीं पावयतालो आनी ताचो ताका खुबूच जाच जातालो. हेय फावटी तशेंच कितें घडलां जावंये. रागाभरांत ताका हो उपाय सुचलो. आनी इतलें करूनय पारो देंवलोना म्हूण मळिल्ल्या भाताचें सुकें तण हाडूंक लावन तें म्हजे मुखार उडयल्लें. आयिल्लो गेल्लो तो देखाव पळेतालो आनी तोंड वळोवन हांसत चलूं लागतालो. म्हज्या मस्तेपणा खातीर ही दींड काडपाची ख्यास्त दिवन म्हजो बापूय म्हाका निवळावंक पळेतालो. पूण ताचो परिणाम म्हजेर कितलो जातालो हें म्हाका सांगूंक येनासलें.

मस्ती करप हो भुरग्याचो नीज सभाव आसता. आनी ती आळाबंदा हाडपा खातीर कोणेंय बळाचो वा दुसऱ्या खंयच्याय नश्ट्या मार्गाचो आधार घेवप ही करणी सैमाचेर केल्ली आगळीक आसता, हें म्हाका कळ्ळें तेन्ना हांव जाणटो जाल्लों.

(चलता)

* * *

विज्ञानिकांनी वेगळीं वेगळीं यानां अंतराळांत सोडलीं. आकांताचो खर्च केलो यानां तयार करपा खातीर. पुणून —

एक गजाल तांकां जमली ना.

यानांत बसून अंतराळांत जे मनीस पावले तांचे मदले कांय जाण आपणाली दिसपटी बरोवंक सोदताले. पुणून इतले वयर एकूय फावंटन पेन, एकूय बॉल पेन, एकूय तिंतेर पेन चलना म्हणपाचें तांच्या लक्षांत आयलें. तांणी विज्ञानिकां मुखार आपणाली अडचण दवरली. कोट्ट्यांनी डॉलर्स खर्च करून विज्ञानिकांनी तांचे खातीर नवीं पेनां तयार केलीं. आतां अंतराळांतूय दिसपटी बरोवंक येता, दर्याच्या पोटांतूय पावल्यार थंयूय बरोवंक येता.

पयर एकलो रशियन अंतराळवीर अमेरिकेंत आसरो घेवपाक आयलो. ताका अमेरिकेंतल्या अंतराळविरांनी विचारलें, 'तुमी वयर बरयताले?'

'हय.'

'कशे?'

'पेन्सिलीन', ताणें जाप दिली.

ओथांबे : एक त्रोसात्मक अनुसर्जन

अना म्हांबरो

रवीन्द्रबाब केळेकारांचें एकाद्रें विचारीक साहित्याचें पुस्तक वाचूंक घेतलें म्हणटकूच पयल्यान पयलीं जें चित्र म्हज्या दोळ्यां मुखार उबें रावता तें हें: रवीन्द्रबाबांले विचार सवकासायेन मुखार चलल्यात. तांचे फाटल्यान रवीन्द्रबाब चलतात आनी त्या विचारांक ओर्दी सोडटात: 'अशे चलात', 'तशे चलात', 'थारात', 'कुशीक सरात' म्हूण.

तांगेलें **ओथांबे** हें पुस्तक वाचतना हें चित्र म्हज्या दोळ्यां मुखार उबें रावलें. **ओथांब्यां**तल्या साहित्याक रवीन्द्रबाबांनी 'चिंतनां' म्हळां. एके वळीन ह्या पुस्तकाची वळख करून दिवपाची जाल्यार 'एका घुस्पल्ल्या पांथस्थाचे विचारीक थेंबे (आनी पांवल्यो) ह्या पुस्तकांत आसपावल्यात' अशें आमच्यांनी म्हणूं येता.

मुळांत रवीन्द्रबाबांलें खंयचेंय पुस्तक वाचूंक घेतलें जाल्यार तांतले ८० टक्के विचार म्हाका कळनात. **ओथांब्यां**चेय बाबतींत हेंच जालें. ह्या पुस्तकांतले जे २० टक्के विचार म्हाका समजल्यात अशें हांव समजतां ते वाचप्यांक समजावन सांगपा खातीर ह्या अनुसर्जनाचो आटाप धरला.

ह्या पुस्तकांतले जे विचार म्हाका समजूंक नात तेय सोंपेपणान हांगा मांडपाचो यत्न केलो जाल्यार म्हाका ते घडये समजतले आनी वाचप्यांकूय कळटले. होय सुवार्थी हेत ह्या अनुसर्जना फाटल्यान आसा.

मुळांत अनुसर्जन म्हळ्यार कितें तें हांव सारकें नकळ. हें उतर रवीन्द्रबाबांलें. ताचो अर्थ तांकां विचारल्यार ते अशी कितें तरी फोडणिशी करतले की ताका लागून म्हजो त्या उतरा विशिंचो घुस्पागोंदळ अदीक वाडटलो. देखून हांव ते वाटेक वचूंक ना.

खासा केळेकारांनी महाभारताचें जें अनुसर्जन केलां तें लोकांक खूब मानवलां. त्या पुस्तकाचें दिल्लींत प्रकाशन करतना राजीव गांधींनी जें उलोवप केल्लें ताचे वेल्यान तांकांय तें – कोंकणी भास येना आसुनूय – खूब मानवलें अशें दिशिल्लें.

तें कळत पसून फुडें फार्टी रवीन्द्रबाबांल्या एकाद्र्या पुस्तकाचें अशेंच अनुसर्जन करूंक जाय असो हांवें ध्यास घेतलो. आनी म्हज्या हातांतल्यान हो वावर आतां जावन पडटा.

ह्या अनुसर्जनाक हांवें 'त्रोसात्मक' म्हळां. ह्या उतराचो अर्थ सरळ आसा. देखून तो सांगना. इतलेंच सांगतां – हें उतर हांवें प्रकाश थळ्या कडल्यान उश्णें घेतलां.

अनुसर्जनाक सुरवात करतां.

१. जिबेचीं कामां तीन – कोडू, गोड, तीख चाखप; कोडू, गोड, तीख उलोवप. आनी कोणाकूय चाळोवपा खातीर ती तोंडा भायर काडप.
— जिबेक हाड ना. ताका लागून मनीस कितेंय उलयलो म्हूण ती मोडना. कोणाकूय चाळयल्यारूय मोडेंना.
— काळजांत आसा तेंच जिबेर येता. काळजांत हुनसाण आसत जाल्यार जिबेर विंगळ्या वरी उतरां येतात. काळीज थंड आसत जाल्यार उतरां बर्फा वरी येतात. जिबेक राखता तोच आपणाक राखता.

२. कसलें काम हातांत घेवचें?
एक आदर्श: ह्या एकाच जिवितांत करून सोंपोवं येता असलें.
दुसरो: एकल्याच्या जिवितांत केन्ना सोंपचें ना असलें.
तिसरो: धा जाणांच्या जिवितांत केन्ना सोंपचें ना असलें.
चवथो: आसूं. (सगळे आदर्श म्हत्वाचे नासतात.)
पयलो आदर्श धरलो जाल्यार मनीस आळशी केन्ना जावंचो ना.
दुसरो धरलो जाल्यार उतार पिरायेरूय म्हातारो जावंचो ना.
तिसरो धरलो जाल्यार मनीस केन्ना मरचो ना.
चवथो: आसूं!

३. कुडिचे भाशेन मनाच्योय कांय गरजो आसतात.
लोकांनी आपणाक लेखचो न्हय ही मनाची एक मुळावी भूक.
मनाची ही मुळावी भूक सोंपे रितीन आनी सभावीकपणान जांची भागल्य- तेच संवसारांत कर्तुत्वहीण जावंक पावल्यात. संवसारांतल्यो वायटांतल्य वायट करण्यो हांचे हस्तुकीं घडून आयल्यात.
आनीक एक सांगूं? धसको बसतलो. तूं कोणाक तुजो दुस्मान मानत सांग पळोवया! जो तुका लेखिना ताकाच.

४. सॉक्रतिशान लोकांक विचारचें, 'तुमचें जोतें तुटलें जाल्यार तें लाव- घेवपाक तुमी कोणा कडेन वतले?'
'चामारा कडेन', लोकांनी जाप दिवची.
'चामारा कडेनूच कित्याक? मेस्ता कडेन कित्याक न्हय?' सॉक्रतिशा- परतें विचारचें.
'जोतें लावपाचें काम चामाराचें. मेस्ताचें न्हय म्हूण', लोकांनी जा- दिवची.
सॉक्रतिशान परतें विचारचें, 'धरुंया, तुमकां कोणाकूय नागोवपाचो आसल जाल्यार तुमी कोणा कडेन वतले?'
'राजकारण्या कडेन.'
'राजकारण्या कडेनूच कित्याक? दोतोरा कडेन कित्याक न्हय?' ता- परतें विचारचें.
'नागोवपाचें कशें तें शिकोवपाचें काम राजकारण्याचें, दोतोराचें न्हय.'
ते बराबर सॉक्रतिशान तांकां विचारचें, 'चोरांनो, तुमचें राज्य कशें चलतलें?'

५. खूब जाण वयर सरना फुडें पडल्यात.
कांय जाण वयर सरचे पयलींच पडल्यात.
कांय जाण शिकले आनी पडले.
कांय जाण गिरेस्त जाले आनी पडले.
मनीस आपणाक व्हड मानपाक लागता तेन्ना तो पडटा.
तो दुसऱ्याक ल्हान मानपाक लागता तेन्नाय पडटा (कसो कोण जाणा!)
व्हड मनशाक आपूण व्हड केन्नाच दिसना. दिसता तेन्नाच तो पडटा.

६. ताचीं मत्तां साप्प वेगळीं: आनी तो म्हजे शेजरा येवन रावला!
हांवें कितें करपाचें?
ताका गाळी घालपाच्यो काय ताका जितो मारपाचो?
हांतलें कितेंय केल्यार हांव त्रासांत पडटलों. म्हूण हांवें पाड पडूं म्हूण ओम्गी रावपाचें. मागीर तो म्हजो शेजार सोडून वतलो.

७. सोंपी आनी कठीण अश्यो दोन वाटो मुखार येवन उब्यो रावल्यो

ल्लर मनीस सोंपीच वाट वेंचून काडटलो. ती काडूंक आयली ना ल्लर कठीण वाटेन ताका वचचें पडटलें. आनीक तिसरी वाट आसा य

जपानांत हांवें एका इश्टाक विचारलें, 'हांगासल्ल्या लोकांक दुयेंसां ड यर्चीं जातात?'

'इर्शी मँटल' ताणें जाप दिली. 'जपानांतले शंबरांतले अयंशीं लोक शे

'मी भाग्यवान', हांवें म्हळें.

'त्याक?'

'आमच्या गोंयांत शंबरांतले णव्याण्णव लोक पिशे', हांवें म्हळें.

का सूऽऽ जालें.

लोक आमकां वळखनात म्हणटात तें खरें न्हय. बेस बरे वळखतात. मोलूय ते बेस बरें आंखतात. आमकां सारके मेजून आमकां आमची सुवातूय ते दाखोवन दितात.

फत आमकां मेजपाचीं तांचीं मापां भरवंशाचीं नासतात. म्हूण ते केन्नाय घुस्पतात.

समाज मनशाची कदर करिना म्हणटात तें खरें न्हय. मनीस समाजाची करिना. पूण ही परिस्थिती सुधारपाचो उपाय कितें? सगल्या प्रस्नांक आसतात म्हूण कोणें सांगलें?

चडांत चड लोक जे वाटेन वतात तेच वाटेन आमी वतात. कित्याक? टेन आमी गेले नात जाल्यार 'ते वाटेन ते गेले नात' अशें लोक ले म्हूण.

आमकां दुख्खां नाका आसतात तरी आसतना दुख्खां जिवितांत . आपय नासतना येतात. आपयल्यार अदीक प्रमाणांत येतात. कित्याक ल्यांत काय म्हूण विचारल्यार 'तुमी आपयलीं म्हूण आमी आयलीं' तात.

~~ख्खान भितरल्यान मनीस गिरेस्त जाता. भायल्यान दळिद्रीच उरता.~~

आमकां जाय तसो संवसार केन्ना चलना. तत्त्वान आमी सगळे . पुणून एकलो येवजिता तसो दुसरो येवजिना. एकलो खाता जेवता दुसरो खायना जेविना. एकलो हांसता तसो दुसरो हांसना. एकलो तसो दुसरो रडना.

चो अर्थ, कोणेंच कोणाची तुस्त वा टिका करची न्हय, असो न्हय. ी. तोंडार टिका करची. असवडीं तुस्त करची. अशें केलें म्हणटकूच श्यभरची तपश्चर्या आनी सेवा मातयेभरवण जाता. ती जावंक दिवंची. र जिणेक अर्थ येता.

१५ ऑगस्ट १९४७ आदलीं पन्नास वर्सां आनी उपरांतचीं पन्नास मात्शीं नियाळून पळोवचीं. केदो व्हडलो फरक पडला?

यलीं भोंवतणीं काळोख पातळ्ळेलो आसतालो. पुणून काळजांत भितर ाड दिश्टी पडटालो. आयज उजवाड भायर सगळे कडेन दिश्टी पडटा. र काळोख पातळ्ळा. तो पळोवंक आमकां दिवो पेटोवचो पडटा. पूण खांत तो दिसना.

वाचपाचें कितलेंशें उरलां. भोंवपाचेंय कितलेंशें उरलां. केन्ना जातलें गळें? एक जिवीत पावपाचें ना. फुडल्या जिविताची वाट पळेतां...

विचारीक बरपावळ तीन तरांची. एक, जी येवजूंक लायता ती. ो, न्हिदयतल्यांक जागयता ती. तिसरी, जागे आशिल्ल्यांक न्हिदयता

तिनूय गूण एकठांय आशिल्ली बरपावळ बरोवंक येवंक जाय. पुणून ते खातीर बरोवपी फकत विचार करपीच आसून उपकरना. लोकांक शाणेपणां सांगता असलोय आसूंक जाय.

१७. एक वाक्य दोन खेपे वाचले उपरांतूय तें सारकें समजलें ना, तर धरून चलूंक जाय, ह्या मनशाक सारकें बरोवंक येना.

समजना असलें बरोवप काव्यांत चलता. कारण तें कोण वाचिना.

बरोवंक बसचे पयलीं एक गजाल स्पश्ट जावंक जाय: हांव बरोवंक बसलां काय आनीक कितें करूंक (गावंक बी) बसलां?

चडशे लोक बरयता आसतना आनीक कितेंय करतात आनी त्या वेळार येवजता तेंच बरयतात. हें बरप दोन खेपे वाचुनूय समजुपाचें ना.

१८. बरोवपाक खंय स्फूर्त येवंक जाय. खरें. पुणून स्फुर्तिचें एक गणीत आसा. ती आपशीं येना. तिका आपोवणो धाडचो पडटा. तो धाडलो ना जाल्यार ती वाट पळेत रावता. आनी शिणटा.

१९. बरयत रावलो म्हणटकूच मनशाक बरोवपाची संवंय जाता.

देखून बरयत रावचें न्हय. मागीर ती मोडटा. लोक मागीर बरोवप्याक आदरान पळेतात.

२०. आपूण बरयतां तें आपूण जिवो आसतनाच छापून येवंक जाय अशें आमकां कित्याक दिसचें? आपूण मेले उपरांत जें छापून येता तें साहित्य अदीक मोलादीक आसता. देखून एका साहित्यिकान आपलें पुस्तक बरोवन जातकूच ह्या संवसाराक अंतरूंक जाय.

२१. जियेवपा खातीर मनशाक कसलें ना कसलें काम मेळूंकूच जाय.

तें मेळ्ळें ना जाल्यार ताणें कपलाक हात लावन ओग्गी बसूंक जाय. ओगी बसप हेंय एके तरेचें कामूच हें ताणें जाणा जावंक जाय.

२२. करूंक फावना असलें कितेंय मनशान केलें म्हणटकूच आमी ताका म्हणटात, 'तुका हें सोबलें ना आं...'

तेंच कर्तुप ताणें परथून केलें म्हणटकूच आमी ताका म्हणटात, 'आतां मात तुका हें सोबलें आं.'

तात्पर्य कितें? (हे गजालीक तात्पर्य ना.)

२३. मनीस जल्माक येतना मेकळो येता. पुणून जल्माक येनाफुडें ताच्या हातापांयांक बेडयो पडटात. त्यो ताका बंदो करतात.

तुमकां सगळे कडेन बंदेच बंदे पळोवंक मेळटात. शिश्य गुरुंचे बंदे. गुरू राजांचे बंदे. राजा धर्माचे बंदे. धर्म रुढिंचे बंद. बंदे बंद्यांचे बंदे.

२४. म्हाका एक संवंय आशिल्ली. जंय पावतालों थंयचो एक ल्हानसो फातर घेवन घरा येतालों. हांवें, हे भाशेन कितलेशे फातर एकठांय केल्ले.

उपरांत त्या फातरांनी घर बांदलें. त्या घराचे फातर आतां शेजारी पाजारी चोरून व्हरतात.

२५. मनशांत एक पशू आसा तसो ताच्यांत एक देवूय आसा. ताका ताच्या पशुची वळख करून दिवंक जाय, देवाचीय करून दिवंक जाय. म्हणटकूच आपणाक देवा कडल्यान पशू कडेन कशें व्हरप हें ताचे ताकाच कळटलें.

२६. जांचे कडेन सत्त्या-संपत-ख्याती सगळें आसा, ते सुखी आसात व्हय? दिसा उजवाडे लापयांव घेवन तांकां सोदचे पडटले. आतां बाजारांत बरे लापयांवूय मेळनात. करप कितें?

२७. संत संत जावंक पावले कित्याक?

१. उलोवं येतालें तेन्ना ते ओगी रावले म्हूण.

२. कोडू जावं येतालें तेन्ना ते गोडसाणेन वागले म्हूण.
३. ओगी बसूं येताले तेन्ना ते टाळमृदंग वाजयताले म्हूण.

२८. समाजाचे नदरेन आपूण पडचो न्हय म्हूण मनीस सदांच जतनाय घेयत आयला. परिणाम: मनीस तिगला, समाज पडला.

२९. शंबर आनी कांय वर्सां पयलीं दिवचले वालावलीकारांच्या घरांत, मुखार शणै गोंयबाब नांवान नांवाजतो जाल्लो, एक भुरगो जल्माक आयिल्लो. त्या दिसा गोंयांत शें-पन्नास आनिकूय भुरगे जल्माक आयिल्ले आसूंक जाय. तांचे भितरल्या एकल्याचीय आमी याद काडिनात. हाचीच कित्याक काडटात?

कारण सादें – ताची आमी याद काडलिना जाल्यार आमकां आनीक दुसरो आसा कोण?

३०. पन्नास भर जालीं म्हणटकूच मनशान आयज मेरेन जें पळेलें, चिंतलें, अणभवलें, जोडलें तें वांटीत रावंक जाय.

पन्नास जातकूच मनशान नवो उद्देग सुरू करूंक जाय.

तो जायना जाल्यार ओगी बसूंक जाय.

३१. मनीस भायर पडटकूच ताका पावोवपाची ताकतीक ताच्या घरच्या लोकांनी करूंक जायना.

कित्याक, मरतल्यांचें प्रमाण इतलें वाडलां, मसुंडेंत लायनीक राव पडटा — मेल्ल्या मनशाक.

३२. मरणाचें एक बरें: तें तुजी सुवात तुका दाखोवन दिता. ती ताणें दाखोवन दिली ना जाल्यार मेल्ल्या मनशाक ती सोदून काडची पडटा. ती सोदून काडटलो जाल्यार ताका परथून जितो जावचो पडटा.

✻ ✻ ✻

☐ ज्यॉर्जिस ब्रोसार्ड फ्रांसांतलो एक विज्ञानीक. कॅनडाक वचून स्थायीक जाला. हालीं हिन्दुस्तानांत येवन गेलो. ताची एक मुलाखत 'डाउन टु अर्थ' नेमाळ्यांत आयल्या. तो म्हणटा—

झाडांपेडांचेर तरांतरांचीं वखदां शिंपडावन तुमी जीव मारून उडोवपाचे जे उपद्व्याप सुरू केल्यात तांकां लागून तुमी स्वताचेंच केदें लुकसाण करून घेतात, खबर आसा तुमकां? कांय जीव तुमची जमीन खणून दितात. कांय जीव जमनीक सारें दितात. कांय जीव जमीन निवळ करून दितात. कांय जीव झाडां फुलयतात फळयतात. एकान एक जीव तुमची कसलीय तरी 'सेवा'च करता. हांकां मारून तुमी तुमच्या पांयांचेरूच कुराड मारून घेतात, हें कशें लक्षांत येना तुमच्या?

तुमी जल्माक आयले ताचे अब्जांनी वर्सां पयलीं सावन ते धर्तरेर जियेत आयिल्ले. तांणीच ही धर्तरी सुजलाम् सुफलाम् केल्ली. तांणीच धर्तरी 'जिवी' दवरल्या.

तांकां मारपाचे तुमी चलयल्यात तसले उपद्व्याप येवरोपाच्या (आनी अमेरिकेंतल्या) लोकांनीय चलयल्ले. तांकां लागून थंयचीं पिसोळीं ना जाल्लीं, गांयडोळ ना जाल्ले, वायट्यो ना जाल्ल्यो. आतां ह्याच लोकांनी वेगळ्या वेगळ्या देशांतलीं पिसोळीं हाडून आपल्या देशांत सोडपाचो, गांयडोळ वायट्यो 'पोसपाचो' धंदो सुरू केला. कितले तरी जीव हाडून तांणी शेतांनी सोडले. आनी उत्पादन कितलें काडलें, खबर आसा?

अमेरिकेंतल्या एका कॅलिफोर्निया वाटारांतलें सफरचंदांचेंच उत्पादन पांच वांट्यांनी चड काडलें.

सैमा कडेन इश्टाचे नदरेन पळोवंक शिकात. तुमकां कितेंच मारपाची छाती जावची ना. एक कीड लेगीत तुमच्या पांयां पोंदा चिड्डून मेली जाल्यार तुमकां सारकी न्हीद पडची ना. तुमची नदर साप बदलतली.

तर-सुवादीक कालम

दिलीप बोरकार

पुरस्कार सदांच खुशालकाय भोगयता अशें न्हय.
तो न्ना केन्ना मनशाक मनस्तापूय दिता.
हेरां नासूं. पूण म्हजे सारक्यांक दिताच दिता.
म्हा एक इश्ट आसा. तो सदांच म्हणटा,
'देवमोठो नाटकी. तो मनशाक सगळें दिता.
उशकांड्यांतल्यान साकर करपाची अक्कल दिता आनी गोडेंमुतूय दिता.
दुडूदेता, गाडी दिता तसो मलेरिया आनी एडसूय दिता.'
नीगत म्हजे बाबतींय केन्ना केन्ना घडटा.
(एस् बी जावपाची न्हय, मनस्ताप जावपाची.)
'तदेव मोठो नाटकी. पुरस्कारूय दिता आनी मनस्तापूय.'
म्हया त्या इश्टाक आतां आनीक एक वाक्य म्हणूंक मेळटलें.
आं तुमी म्हणटले, पुरस्काराक आनी मनस्तापाक संबंद कितें?
कोणी लेखकाक पुरस्कार मेळप म्हळ्यार ल्हान गजाल न्हय.
तेकतलेय खरडूं तांकां मानधन म्हणटात तें केन्ना मेळना.
अशा वेळार तांकां वाट पळोवची पडटा ती पुरस्काराची.
आं पुरस्कार मेळटलो आनी बुडकुलो रांदनीर चडटलो अशें न्हय.
कोणी लेखक तशे आजून खावन पिवन सुखी आसात.
अ आसलें तरी लेखनाचेर दुडू मेळपाची गोडी आगळीच.
आी तें फकत शक्य जाता कसलोय पुरस्कार मेळटकच.
मका हे गोडयेची म्हळ्यार खोशयेची एक याद जाता.
हा धा वर्सां पयलीं एकदम म्हजीं पांच पुस्तकां उजवाडायलीं.
एकदम पांच पुस्तकां छापलीं म्हूण म्हजी तोखणाय जाली.
अं हे आर्दी फकत र. वि. पंडितान केल्लें खंय.
आलीं कवितांचीं पांच पुस्तकां एका दिसा उजवाडायलीं.
तेखातीर ताणें आपले मालकिचो एक दोंगर विकिल्लो.
(ा दोंगराचो 'दोंगर चंवल्ला' पुस्तका कडेन संबंद ना.)
ता हांवें कितें विकलें होच प्रत्येकाक प्रस्न पडलो.
तें समजून घेवपाक जण एकलो म्हजी तोखणाय करी.
व्य जाण पडलो फोंडांत म्हणून म्हाका पंप मारताले.
(चे भितर गुरुनाथबाब केळेकार बी नाशिल्लो. गैरसमज नाका.)
र पांच पुस्तकांचें मोल हांवें देडशें रुपया दवरिल्लें.
गवंत पालेकार तेन्ना भाशा मंडळाचे अध्यक्ष.
क दीस धवेच कपडे घालून बॅग हातांत घेवन ते म्हाका मेळ्ळे.
तांतलें बॅग तांणी आपल्या दोनूय पांयांनी चिड्डून धरलें
नी दोनूय हातांनी म्हजो एक हात दामून अभिनंदन केलें.
णी आपलें बॅग जमनीर दवरूं येतालें.
वें बॅग म्हळ्यार रावणाचें, म्हळ्यार शंकराचें लिंग नाशिल्लें
मनीर दवरलें आनी थंयच घट जालें अशें जावपाक.
वाय आमी उबे आशिल्ले ते डामराच्या चकचकीत रस्त्यार.
री आसतना ब्रिफकेस दोनूय पांयांनी चिड्डून धरप?
दाव्या हातान धरून उजव्या हातान अभिनंदन करूं येतालें.
सता एकएकल्या अध्यक्षाचो आगळो वेगळो सभाव.
लेकारांच्या अभिनंदनान हांव सामको भुल्लुसलों.
ळें चल, आयज हातांत देडशें रुपया पडलेच.
वें बोटव्यांतल्यान पुस्तकांचो सॅट काडून मुखार धरलो.

अपेक्षा पालेकारबाबान तो घेवन देडशें रुपया दिवंचे.
त्या देडशें रुपयांचेर म्हजो दिसाचो फुडार थारपाचो.
धा वर्सां पयलीं म्हजे कडेन स्कुटर आशिल्ली.
हांव तेन्ना दर दिसा देडशें रुपयांचो एक सॅट विकतालों.
तातुंतल्यान स्कुटरीक पेट्रोल आनी म्हजें जेवण जातालें.
(आतांय परिस्थिती वेगळी ना. फरक इतलोच – तेन्ना स्कुटरीक पेट्रोल घालतालों, आतां गाडयेक घालतां.)
पालेकारबाबान म्हजीं पुस्तकां घेवन आरतीं परतीं तपासलीं.
पुस्तकांचें मोल बी बारकायेन पळोवन घेतलें.
दिसलें हो आतां पांयांनी चिड्डिल्लें बॅग काडटलो,
म्हजो पुस्तकांचो सॅट त्या बॅगांत घालतलो,
त्याच बॅगांतले वो बोल्सांतले देडशें रुपया काडून दितलो.
पालेकारबाबान बॅग हातांत घेतलें आनी पुस्तकां म्हाका परतीं दिलीं.
म्हाका दिसलें, बॅग उगडूंक तीं म्हाका धरपा खातीर दिल्यांत.
हांवें पुस्तकां हातांत घेतलीं तरी बॅग उगडना.
पालेकारबाब चावी भाशा मंडळांतूच विसरून आयिल्लो जावंये!
'तुंवें पांच पुस्तकां काडून बरें केलें. आतां तूं अशें कर.'
पालेकारबाबान म्हाका म्हळें आनी 'कशें कर' तें पळोवंक लागलों.
'भाशा मंडळाची पुरस्कार येवजण आसा. पुस्तकां धाडून दी.'
ताच्या सल्ल्या प्रमाण हांवें पुस्तकांच्यो तीन तीन प्रती धाडल्यो.
हय सांगूं येता! नशीब उगडपाचें आसल्यार अशेंच घडटा.
भाशा मंडळाच्या अध्यक्षान म्हाका रस्त्यार अशें मेळप,
पुरस्कार येवजणेची खबर सांगून पुस्तकां धाड म्हणप
म्हळ्यार पुरस्कार मेळपाची खुबूच संद आशिल्ली.
कांय दिसांनी मंडळाचे पुरस्कार जाहीर जाले.
म्हाकाय कोणाच्या तरी नांवान दवरिल्लो पुरस्कार मेळ्ळो.
पांच पुस्तकां मदल्या फकत एका पुस्तकाक.
म्हणजे म्हजीं चार पुस्तकां फुकट गेल्ले भशेन जालीं.
देडशें देडशें देडशें म्हळ्यार साडेचारशीं रुपया जाल्ले
आनी पुरस्कार मेळिल्लो म्हाका अडेचशें रुपयांचो.
पूण त्या साडेचारशीं रुपयां मुखार हे अडेजशें म्हाका व्हड.
कितलेय जाले जाल्यार पुरस्काराचे दुडू ते. अनमोल!
पुरस्कार वितरण सुवाळो फोंड्या शारांत दवरिल्लो.
भरगच्च गर्दी. लोकांच्यो ताळयो. म्हाका तोखणायेन पळोवप!
हांव सपनां रंगयत स्कुटरी वेल्यान फोंड्यां गेलों.
तरी म्हजें नशीब बरें! टॅक्सी करून वचपाचें येवजलें ना.
फोंड्यां वचून सुवाळ्याची सुवात सोदून काडली.
तो सुवाळो एके शाळेंतल्या क्लासरुमांत आशिल्लो.
थंय बांकांचेर चार-पांच बोडकां आशिल्लीं.
आनी मेजाचेर एक भरिल्लो उदका तांबयो आशिल्लो.
त्या तांबया कडेन पळयत अध्यक्ष कितें तरी येवजितालो.
हांव भितर सरना फुडें थंयचो प्रत्येक जाण उठलो.
म्हाका दिसलें ते आतां घरा वचूंक उठल्यात काय म्हण.
पूण ते म्हजें अभिनंदन करूंक उबे राविल्ले.
चवकशी केली तेन्ना तांकांय पुरस्कार मेळिल्लो तें कळ्ळें.
हांवें तांच्या पुरस्काराची रक्कम विचारून तांचें अभिनंदन केलें.
तांतुंतल्या एकल्याक देडशें रुपयांचो पुरस्कार मेळिल्लो.
म्हाका तेय परिस्थितींत समाधान भोगलें.
जावं, म्हजे परस सकयल कोण तरी आशिल्लो.
पूण ताच्या पुस्तकाचें मोल धाच रुपया आशिल्लें.

आनी ताणें एकाच पुस्तकाच्यो तीन प्रती धाडिल्ल्यो.
थंयूय पाड पडिल्लो म्हाका मनस्ताप. पूण सोंसलो हांवें.
पुरस्कार जैतवंतां मर्दीच अध्यक्षान पुरस्कार भेटयले.
हांव अडेचशें रुपया घेवन थंयच्यान भायर सरलों.
शंबर रुपयांचें पेट्रोल घालें, देडशें रुपयांची पार्टी केली.
तरी लेगीत म्हाका त्या पुरस्काराचें केदें व्हडलें अप्रूप!
अशीच गजाल हार्लीच म्हळ्यार फाटल्या म्हयन्याक घडली.
म्हजें 'रुक्षप्रस्न' पुस्तक छापून तयार जालें
तेन्नाच मणिपालच्या पै फाऊंडेशनान सर्त जाहीर केली.
बऱ्या पुस्तकाक पंचवीस हजार म्हणटकच आस जाली.
गेल्यार तीन पुस्तकां गेलीं नातर पंचवीस हजार आयले.
पुस्तक छापणावळिचो अर्द खर्च तरी सुट्टलो.
पुस्तकां धाडलीं आनी पुरस्कार मेळ्ळो. दोन हजारांचो.
पाड पडूं म्हळें. गरजेभायर लज करून घेतली.
ना म्हळ्यार फाऊंडेशनाक एक पत आसा.
कलावृंदाच्या गोमंत भूषणा परसूय चार आंगळां चड.
लज दिसली ती वेगळ्याच कारणाक लागून.
होच दोन हजारांचो पुरस्कार हे आदीं जायत्या जाणांक मेळिल्लो.
ह्यो विजेत्यो म्हाकाय आपले पंगतीक बसोवपाच्यो.
देखून म्हळें ही बातमी छापून येना जाल्यार पुरो.
लोक पुरस्कार मेळटा आनी फोटो येता काय पळेतात.
हांगा म्हाका पुरस्कार मेळून फोटो-बातमी नाका आशिल्ली.
एकल्याक पंचवीस आनी दुसऱ्याक फकत दोन हजार!
श्रीमती आनी गरिबी हांचे मर्दी हें इतलें अंतर!
एकूच समाधान म्हळ्यार पंचवीस हजार रवीन्द्रबाबाक मेळिल्ले.
तांचे वांगडा तो पुरस्कार घेवंक म्हाका मोठेपणूच भोगपाचें.
देखुनूच हांवें तो पुरस्कार घेवंक मणिपालाक वचपाचें थारायलें.
मणिपालाक वतलों अशें हांवें बायलेक म्हळें.
पयलीं ती मातशी भियेली तेन्ना कित्याक वतां तें सांगलें.
पूण मणिपालच्यान आयिल्लें पत्र दाखयलें ना.
दाखयलें जाल्यार ते दोन हजार ताका दिसपाचे.
दोन हजार घेवंक मणिपालाक वचप वेव्हारी नाशिल्लें.
ते खातीर हांवें गाडी घेवन वचप म्हळ्यार म्हजी मूर्खपणा.
'ना, तांणी टॅक्सीन यो म्हळां' अशें सांगपूय पिशेपणां.
दोन हजार दिवंक कोण पांच हजार खर्च करचोना.
लायन्स क्लब बी करतात ती गजाल वेगळी.
म्हणटकच सगळें लिपोवन म्हाका मणिपालाक वचूंक जाय.
हांव मणिपालाक वतां म्हणपाची गजाल गांवार कळ्ळी.
आतां मणिपालाक वचप म्हळ्यार गांवांत वेगळेंच.
आंतोनीक कॅन्सर जाला म्हूण मणिपालाक व्हेल्लो.
तो पंदरा दिसांनी मागीर वयर गेलो.
केंसराक पोटांत दुखता म्हूण बांबोळे घाल्लें.
थंय दोतोरांनी ताका मणिपालाक व्हर म्हूण सांगलें.
हांव मणिपालाक वतां हें आयकून पयलीं आवय भियेली.
'तो बरो आसा मगो? ह्या दिसांनी खांकतालो म्हूण म्हणटां.'
आवयन बायलेक हळूच विचारलें.
हळूच म्हळ्यार म्हाका आयकूंक येता तशें.
'सिगारां ओडून तें. ताका कांयच जायना.' बायलेन राग काडलो.
तें पळयतालें आपल्याक यो म्हणटा काय म्हूण!
व्हरूं येतालें. पूण व्हेल्यार ते दोन हजार कळपाचे.
हांगा निदान वीस हजार म्हूण बंडल मारूं येतालें.
'तो मणिपालाक वता पुरस्कार घेवपा खातीर.'
'कितले मेळ्ळ्यात? खर्च भागतलो मगो?'
तिका म्हजे दिल्लीचे पंचवीस हजार खबर आशिल्ले.
ते हाडूंक बँगलोराक विमानान गेल्लों तेन्ना वांगडा बायल आशिल्ली.
विमानाचे पयशे कॅश दिल्यात ते बायलेन पळयल्ले.
आतां हांगाय आपल्याक व्हरतलो अशें तिका दिसतालें.
पूण 'केन्ना वता, केन्ना वता' करूनय हांव तिका तयारी करूंक सांगनाशिल्लो
निमाणें तिणेंच म्हाका विचारलें, 'वांगडा कोण वता?'
हालीं म्हाका एके चलयेचे सातत्यान फोन येताले.
तें म्हजें विद्यार्थी. दिवाळी आंकाचीं प्रुफां तपासता.
ताचे फोन अचूक बायलूच आसता तेन्ना येतात.
हांवें म्हळें, 'वांगडा रवीन्द्र केळेकार वता. ताकाय मेळ्ळा.'
अशें म्हणटकच हांव बंडलां मारतां हाची ताका खात्री जाली.
पूण रवीन्द्रबाबाचो फोन आयलो तेन्ना ताची खात्री जाली.
आमी पुरस्कार घेवंक न्हय, तर रवीन्द्रबाब नाक दाखोवंक वता
आनी हांव ताची सेवा करूंक वांगडा वतां,
रवीन्द्रबाब काकासायबांची करतालो तशी.
घे. सगळ्याक बोवाळ हांव रवीन्द्रबाबाक घेवन मणिपालाक वतां.
कितें जालां, कितें जालां अशें जायत्या जाणांनी विचारलेंय बी.
पुरस्कार घेवंक वतात अशें स्पश्टपणान सांगपूय जमना.
दिसलें, पेपरांचेर दोगांयचे फोटो छापून बातमी दिवंची.
'केळेकार आनी बोरकार हांकां पै पुरस्कार.'
पूण एकल्याक पंचवीस आनी दुसऱ्याक दोन कशे छापचे?
ते परस कोणाक दाखोवंक व्हरतात होच समज बरो.
रवीन्द्रबाब आनी हांव मणिपालाक वचून आयले.
तीन दीस बरे हॉटेलांत रावले. खाले-पिले.
खाले-पिले हो हांगा सर्वसामान्य टर्म.
रवीन्द्रबाब वांगडा आशिल्ल्यान फकत खालें.
पिवपाची संद आसतनाय पिवंक मेळ्ळेंना.
तो कांयच म्हणचो नाशिल्लो पूण आमी वांगडा रावताले.
एकाच रुमांत रावून गजाली मारताले.
हांवें खूब जाणांक पिवपाक शिकयलां अशें लोक म्हणटात.
हांगा तांचीं उतरां म्हाका खरीं करपाचीं नाशिल्लीं.
देखून हांवें म्हजेंच मन मारून उडयलें.
उपरांत ल्हानशा सुवाळ्यांत पुरस्कार घेतलो.
धा वर्सां पयलीं पुरस्कार क्लास-रुमांत घेतिल्लो.
हांगा घेतलो तो मातश्या व्हडल्या हॉलांत.
त्या वेळार भाशा मंडळाचो अध्यक्ष हाजीर आशिल्लो.
हांगा ह्या वेळार फाऊंडेशनाचो अध्यक्ष हाजीर नाशिल्लो.
पूण म्हाका व्हडलोसो फरक पडलो ना.
आमी पुरस्कार घेवन घरा येवन म्हयनो उलगलो.
आनीक कोणूय जाल्यार रोखडी बातमी दिवपाचो.
हांव हे भानगडींत मात पडलोंना.
प्रसिद्धी नाका अशें न्हय. ती जायच.
पूण दोन हजारांची गजाल लोकांक कळटली.
तीय कळ्ळ्यार उपकारताली आतां म्हाका.
पूण कोणेंय म्हळें जाल्यार, 'तातूंत कितें? म्हाकाय मेळ्ळा तो पुरस्कार!'
तोच मनस्ताप चड त्रास दिवपी.
पुरस्कारान मनस्ताप भोगयला तो असो म्हाका! ***

आयचोच दीस

मूळ मराठी : मंगेश पाडगांवकर

आकार : शंकर रामाणी

…गो, आयचोच दीस घरांत राव,
…टा तुज्या भुरगें आसा !

…क तर मातय सुमार ना,
…र फातरांचो शिंवर जावंचो
…कोंसळटा !

… थंय पावसा-लोटान
…क सेर्क घाला,
…टातली घाण तुमल्या आशिकुशीक,
…डत वचपी
… लेगीत वाटेरच बंद पडल्या!

… तूं तर अशें
…र वचपाचे तयारेंत,
…कारकें भायर पळेत,
…स्थ नदरेन पावसाचो अंदाज घेत...

…बा-पाणी चडत वता,
…डेंगांचे सोणकुटेर फुलयल्ले वरी
…वी फिरिल्लो वारो खुबळ्ळा !
…गो, आयचोच दीस घरांत राव,
…त तुज्या भुरगें आसा !

ईश्वर

प्रकाश पाडगांवकार

निळ्या मळबाचें जाळें
रानांची पांचवी क्रांती
मळबा कुसव्यांत वारो
सारीत सुगुर्व्या ज्योती

सैमाचो जिवो कॅन्वास
रंग विणून विशाळटा
महाकाय सांवळी एक
थंय कोणाक वळखता

नटून दिगंताच्यो रांगो
पखवाजाचे सूर व्हांवले
कृतार्थताये न्हंय भेटून
जागले म्हादर्या दुवाळे

पयस वाजून चौघुडो
नखेत्रांची पालखी गेली
रथार बसून सूर्यदेवान
उजवाडाचीं वर्सां पेरलीं

सासणाच्या मोगा पासान
शुद्धताये व्हांवलो थर
जावन विचार मुक्त विशाळ
घोळटा उतर अजरंवर

देवा अनंता

सु. म. तडकोड

तुजो स्वर कसो निराकार, अपरंपार
आयकूंक येता तो पावसाच्या तालांत धोलतना
शेकानशेक पातळिल्ले मातयेंतल्या शून्याक जागयतना
आकूळपिकूळ प्राणांत श्रद्धा पोसवतना...

तुजो स्वर कसो सर्वव्यापी, रुतुंचो बहार
निःशब्द जावन रिगता शिरंतरांत
आनी नाच्च करता कळिकाळाच्यो किळांच्यो
पिंजिल्ल्या आत्म्यांत फांतोड्डेचीं किर्णां फुलयत...

देवा अनंता, आयकूंक शिकय
नितळ मनान तुजे सर्वमंगल स्वर,
आनी तुज्या स्वरांचें मोल कळूं काळखाक प्रभू मानतल्यांक
आनी कळूं झुजतल्यांक आपणा कडेन;
आनी मनाचें गर्भागार जावं दी निर्मळ नि उगतें
आत्मबळ वाडयत सज्जनां खातीर, सुजनां खातीर...

रोझ डे : कांय कविता

सखाराम गो. शे. बोरकार

१.
जें तुका हांव
उतरांनी सांगूंक शकलों ना
तें काम पळय
एका गुलाबान केलें.

२.
ये!
मोग उक्तावपाक
गुलाबच कित्याक
दुसरें फूल उपकारना?

३.
हांव जाणां
तुज्या गुलाबी पोल्यांची सर
हांवें दिल्ल्या गुलाबाक
येवंची ना
पूण मोगा...
आयज जरी तुका दिवपाक
गुलाबा बगर
दुसरें फूल ना.

४.
तुका दिवपा खातीर गुलाब
म्हाका खंयच मेळ्ळो ना
कित्याक जाणा?
तुका दिवपा सारको गुलाब
आजून लेगीत फुलूंक ना.

५.
जिणेंतले सगळेच दीस
'रोझ डे' जाल्ले जाल्यार
संवसार सगळो गुलाबीच
जातलो आसलो न्हय?

६.
तुजेर मोग उक्तावपाचो
इतलो सोंपो मार्ग
'रोझ डे' पयलीं
म्हाका खबर नासलो.

७.
हांवें दिल्लो गुलाब
पावला कणकणी
तूं फकत म्हजें ही
तुका याद करून दितलो.

८.
हांवें दिल्लो गुलाब
तुवें माथ्यांत खोयलो
तुजो-म्हजो मोग
सगळ्यांनी चोयलो.

९.
हांवें तुका दिल्लो गुलाब
कांय खिणांनीच बावतलो
वेल्या तुज्या मोगाचेंय
अशेंच जायना मुगो?

कविता नदरेच्यो

भालचंद्र गांवकार

१.
म्हजे नदरेंतलें शिल्प
देवान...
तुज्या रुपांत ओतलां...
तेन्ना सावन
हांव... असो
शिल्पा वांगडा
नदरूय वगडावन बसलां!

२.
तुजे नदरेच्या
सपनाळ्या गांवांत
हांव... वाट चुकिल्लों
एक प्रवासी!
कितलो चलतां...
दोंगर आनी घळयो हुंपतां...
आनी
परतोय थंयच पावतां!
आतां जाल्यार...
चिंतपाक पडलां
हो गांव वांटकुळोच काय कितें?
ना जाल्यार
गांवाचो हो चक्रव्यूह
मोडपाक कसो जायना?

३.
तुजे नदरेच्या धांवांतल्यान
जसो हांव...
तुज्यांत रिगतां...
तुका खबर नासतना!
तशें तूं कित्याक करिना?
काळजाचो आंकवार भाग
कित्याक भरिना?

४.
नदर पिकल्या...!
सपनांच्योय पांकळ्यो
एक एक करून झड्टात...!
तरीय
मन शेणटा... आडवाटांनी!
आनी सगळें
उणें म्हूण काय कोण जाणा
भुरगेपणाचे...
शाळेचे वाटे वयली
ती वोंवळ
आजुनय
कुचकुचीत फुलता...!
ताळयेन... ताळी
ता – ळ – ये – न
ता – ळी!

आमी एक

नयना आडारकार

आमी भजुंया सूर्य-चंद्राक
जांच्या उजवाडाचें सगल्यांक एकूच माप
आमी त्यजुंया आमचे भितरल्या
सुवार्थाचें, विकारांचें पाप

आमी गांठुया उंचाय मळबाची
जाचे वेंगेंत येसू अल्ला देव
आमी माड्डुंया मोटवे नदरेन
मनांमनांत उठिल्लो खेव

आमी पुजुंया भुंयेक आनी
सैमाचें आपलेपण
मनीसजात ही एकूच सगळी
एकूच रगता रंग.

घर

हर्षा शेट्ये

हळडिच्या पांयांनी
हुमऱ्या भायर सरतना
फाटीं वळून
म्हज्या घराक
म्हज्या कुळाराक
पळयलें दोळे भरून
तें चार चवक्यांचें
नळ्यांचें घर
मदलें आंगण
आंगणांतली तुळस
कोनशावेलें पारजताचें झाड
घरामुखावेलें सोपे
एके नदरेन
पोरण्यो सगळ्यो यादी
जाल्यो जिव्यो तट्टटीत —
सालांत खांब्या भोंवतणी
भावंडां वांगडा खेळिल्लें
आपालिपा कुदुऱ्यो
ओल्तेरार बसपी आजो
काणयो सांगपी आजी
तांचे जिणेंतले ते निमणे खीण
साखरपुड्याचो सुवाळो
एक एक खीण
काळजान कोरांतलो सासणाचो

फाल्यां कोण सांगत
म्हजें कुळार
ह्याच जाग्यार आसतलें म्हूण?
घडये कोणा बिल्डराची नदर
ह्या घराचेर पडत
म्हज्यो सगळ्यो यादी
बुलडोझरा पोंदा चिड्डत
हांगा एक व्हडली इमारत
उबी रावत
मागीर खंयचो पारजत
आनी
खंयचो घमघम
त्या चार कुडिंच्या घरांत
न्हय, फ्लॅटांत
आसतलो फकत
गिरेस्तकायेचो घणघण.

ऑक्टोबर म्हयन्याच्या आंक़ांत १११ पानाचेर रवीन्द्रनाथांच्या दोन कवितांचो भौ. माधवबाब बोरकारान केल्लो अणकार आमी उजवाडायला. ह्यो **एकोत्तरशतीं**तल्यो कविता, **गीतांजलीं**तल्यो न्हय. आमचे चुकीन **'गीतांजलीं'तल्यो दोन कविता** ह्या माथाळ्या खाला त्यो उजवाडा आयल्यात.

— वावुरपी संपादपी

म्हाका तांची याद येता

फेलीस्यु कार्दोज

एका दिसा आग्वादाचे बंदखणिचे ७ आंकाचे कुडींत एका कैद्याक हाडून दवरलो. म्हाका तो धनगरसो दिसलो. तो आंगार एक चेड्डी, बानयान आनी माथ्यार एक तुवालो गुटलावन आसलो. ताच्या एका हातांत एक पिशवी आनी दुसऱ्या हातांत एक शेंदरी आसली. ताका घेवन आयलल्या सार्जेंतीन एका कागदार बरोवन आशिल्लें ताचें नांव दाखयलें : आत्माराम नाना पाटील. नांव पळेवन हांव अजाप जालों. फाटले पांच-स म्हयने ह्या नांवान आयलल्यो चिटी काब ना तर सार्जेंत हाडून म्हजे कडेन दितालो. ह्या नांवाचो मनीस आग्वादाचे बंदखणींत ना म्हण सांगून हांव त्यो परत दितालों. म्हज्या सांगात्यान – नारायण यशवंत पाटीलान दोन-तीनदां म्हाका अशें म्हणललें लेगीत : 'ताका केन्ना मारून उडयलो देवाक खबर!'

आत्माराम पाटील कराडचो. आग्वादाक हाडललो तेन्ना तो मदले पिरायेचो. त्या काळार कराडांत शिकलले लोक चड नासलो. 'स्कॉलर्स' म्हटलले तिगूच आसले खंय : भय्या शास्त्री वाटवे, गोवर्धन दास पारीख आनी ह.र. महाजन. आत्माराम पाटील थोडें शिकललो देखून कोण कोण ताका 'अर्दो स्कॉलर' म्हणटाले. वेवसायान तो शेतकामती. भारताचे स्वतंत्रतायेचे चळवळींत ताणें वांटो घेतलो. तो शेतकारांचो फुडारी आसलो. ब्रिटीश हिंदुस्थानांत राज्य चलयताले तेन्ना ताची आमदार म्हूण नेमणूकय केल्ली. शेतकारांच्या आनी कामदारांच्या जमातिंनी आत्माराम पाटील बरीं भाशणां क्रतालो देखून ताचो महाराष्ट्रांत बरोच लोकीक जाल्लो.

१९५५ वर्सा जुनाचे ४ तारखेर आत्माराम पाटील ७२ सत्याग्रहींक घेवन कारवारच्यान काणकोणांत भितर सरललो. सगल्यांक पुर्तुगेज पुलिसांनी निश्ठुरपणीं बडोवन गोंयचे शिमे भायर धांवडावन घाल्ले. कांय दिसांनी आत्माराम पाटील आनी शिवाजी सावंत पेडणेंच्यान गोंयां आयलले. शिवाजी आत्मारामाक एके सुवातेर बसोवन रोखडो येतां म्हणून खंय तरी गेलो. आत्मारामाक पळेवन पुलिसांक दुबाव मारलो. तांणी ताका धरून वळवयच्या क्वार्तेलार व्हेलो. उपरांत स म्हयने ताका एके काळखे कुडींत कैदी करून दवरलो.

आग्वादचे बंदखणींत आसतना आत्मारामबाब सदां सांजेचो सुमार एक वर व्याख्यान दितालो. राजकारणा शिवाय हेर साबार विशयांचेर.

आत्मारामबाब एम्. एन्. रॉयाच्या 'रॅडिकल डॅमॉक्रॅटिक पार्टी' ह्या पक्षाचो वांगडी आसलो. ताची घरकान्न श्रीमती शांताबाई पाटील बरी सुशिक्षीत, ग्रॅज्युएट आसली. महाराष्ट्राचो मुखेलमंत्री जावंक पावललो भौ. यशवंतराव चव्हाण ल्हान आसतना आत्मरामबाबागेर रावतालो. ताच्या जेवणा-खाणाची आनी शिक्षणाची वेवस्था श्रीमती शांताबाईच करताली खंय. एकदां ताका घरच्यान एक चीट आयली. चीट वाचून तो सामको अस्वस्थ जालो. ताका कसली पूण वायट खबर आयल्या म्हण म्हाका दिसलें. ताणें म्हाका कितें घडलां तें सांगलें. ताचो चेलो यशवंतराव 'रॅडिकल डॅमॉक्रेटिक पार्टी' सोडून काँग्रेस पक्षांत भितर सरललो.

१९५७च्या मार्साचे १५वेर पुर्तुगेज सरकारान आत्मारामबाबाची सुटका केली. ताका पोळेंच्यान व्हरून गोंयचे शिमे भायर सोडलो.

आनीक एकलो पाटील म्हज्या फुड्यांत आसलो – नारायण यशवंत पाटील. तो सभावान सादो आनी मेकळ्या मनाचो आसलो. 'रेफोर्माद' शिपाय दिसपट्टीं आमकां बाजारांतले जिन्नस हाडून दिताले ते सांगात्यांक वांटून दिवपाक तो म्हाका मदत करतालो.

पुंडलीक भगवान पडवळ – हो मूळचो मालवणचो* पूण मुंबय रावतालो. मुंबयच्यान गोंयां येवन १९५५ वर्सा जानेराचे २६वेर सत्तरी म्हालांतल्या धावें गांवांत ताणें सत्याग्रह केल्लो. त्या दिसा त्या गांवांत पुर्तुगेज पुलि २६ सत्याग्रह्यांक कैदी केल्ले. हांतुंतले २१ गोंयकार आसले आनी प जाण गोंया भायले. ह्या पांच जाणांत पुंडलीक भ. पडवळ आसलो. ता हेर २५ सत्याग्रहीं बराबर पयलीं वाळपयच्या क्वार्तेलार दवरून उपर पणजेच्या पुलीस-क्वार्तेलाचे बंदखणींत बंद केल्लो. कांय दिसां नंतर पण आल्तिनावयले बंदखणींत दवरून मागीर ताका आनी साबार जाण आग्वादांत हाडलले. पुंडलीकाक तेच परी हेरांक पुलिसांनी भारी बडयल

पुंडलीक आंगान दाटो-मोटो आसलो. आग्वादाक हाडला तेन्ना तो वर्सांचो दांडगो. स्तालिना परी लांब मिशयो दवरतालो देखून तो पळे क्रूर सो दिसतालो. ताच्या ह्या रुपाक लागून कॉमांदांत कॉश्त आफोंस ता बेश्टोच जळटालो. एका दिसा हांवें कॉश्त आफोंसाक सांगलें : 'पुंडल सभावान सामको थंड आनी सादो-भोळो.' तेन्नाच्यान तो पुंडलीकाक सताय जालो. पुंडलीक मराठी आनी मालवणी कोंकणी गितां बेस बरीं म्हणटा 'चेडवा आयचे घडये राव गो' हें गीत तो उत्साहान गायतालो. केन्न एकल्या-दुकल्याक ताचीं फकाणां मारपाची कूय येताली. ताच्यो मस्क चडच जातच तो म्हजे कडेन रडकुरो जावन तक्रार घेवन येतालो : 'फेलिक्सभ ते म्हाजी टिंगल करतात.' मागीर तांकां चेशटायो करपाचें बंद करपा म्हाका सांगचें पडटालें. पुंडलीक पडवळ पडवळ्यांची भाजी खायनासल हांवें ताका ताचें कारण विचारलें. ताणें गमतिचोच जबाब दिलो : 'हांव पडव म्हज्यान पडवळ्याची भाजी खावपाक जायना. पडवळीं आमचे पूर्वज!'


रामचंद्र पोकळे पुणेचो. आंगलटीन बारीक. देसभक्ती गितां बेस ब गायतालो... विजय गोगटे आमचे मदें पिरायेन ल्हान आसलो. तो भटांच कुटुंबांतलो आसून सामको शिवराक जेवपी. ताका मासळेचो वास बिलकू सोंसनासलो. सुंगटां बी दुसरो हुजरायतना पळेल्यार ताका ओंकार येताल

नर्मद प्रसाद शर्मा – मूळचो ग्वाल्हेरचो. हो १८ वर्सांचो तरणाटो मुंबय मॅकानिकाचें काम करतालो. गोंयचे सुटके चळवळिच्यो खबरो आयकून ता मन उमेदीन गुदगुदलें. सुटकेचे लडायेंत आपूणय सहभागी जावंक ताणें चिंत काम सोडून तो बेळगांवां आयलो आनी 'नॅशनल काँग्रेस गोवा'च्या कार्यकर्त्यां भेटलो. श्री. माधव बीरान ताका गोंयचे शिमेर हाडून सोडलो. ६ सेप्टे १९५४ दिसा, फांत्या पारार तो सरहद पार करून पणजे वचपाक गेल सुमार साडे इकरा वरांचेर तो इदालकांव पालासी (आतांचें सचिवालय लागीं पावलो. ताच्या हातांत एक पोती आसली. पहारो करपी सैनिका ताका तापयलो आनी थंयचो आंबुडलो. मागीर तो पालासिचे उत्तरे वटे आसलल्या दाराशीं गेलो. थंय बंदूक घेवन उबो आसलल्या सैनिका मुखा वचून ताणें आपल्या खमसा भितर लिपोवन दवरललो तिरंगी बावटो भाय काडलो. व्हडल्यान 'जय हिन्द, जय हिन्द' म्हणून बावटो वयर काडू हालोवंक लागलो. ताका रोखडोच धरलो आनी बरोच बडोवन कैदी करू दवरलो. कांय दिसांनी ताचेर 'पुर्तुगेज राष्ट्राचो विघातकी' ह्या आरोपा खाल खटलो प्रदेशीक लस्करी न्यायालयांत दाखल केलो. चार म्हयन्यां उपरां पुर्तुगेज सरकारान आपलें धोरण चिके बदललें. ते परमणें १९५५ वर्सा जानेराचे १४वेर, हेर भारती सुटके झुजाऱ्यां बराबर ताका हद्दपार केलो.

(चलता

* मनोहर हिरबा सरदेसाय हांणी बरयल्ल्या 'गोवा दमण दीव स्वातंत्र्य लढ्याच इतिहास' ह्या पुस्तकांत (खंड २, पा.६४) 'जेकब सोलोमन, क्रिस्तोफर इसा हे केरळचे व पुंडलीक पडवळ हे आंध्रचे होते' अशें बरयलां. तें चुकिचें. पय दोग जाण आंध्र प्रदेशांतले आनी पुंडलीक पडवळ मालवणचो.

'दिसा सपन' वास्तव जायत काय ?



प्रदर्शिनी तडकोडकर

लाक्षणीक विशयांचेर अधिकारवाणीन बरोवपाक हांव शिक्षणतज्ञ न्हय. रतशिक्षणाच्या विंगड विंगड मळांचेर फाटलीं कांय वर्सां वावुरिल्ल्यान शया शिक्षणीक मळा वयल्या वास्तवाची तरी म्हाका जाण आसा अशें ांव्समजतां. देखून ह्या मळार हालींच उजवाडा आयिल्ल्या एका लाक्षणीक स्तकाची वाचप्यांक मुजरत वळख करून दीन दिसता. एक नामनेचे भारतीय शिक्षणतज्ञ गिजुभाई बधेका (१८८५-१९३९) हांगेल्या 'दिवास्वप्न' ह्या स्तकाचो रवीन्द्र केळेकार हांणी केल्लो अणकार 'दिसा सपन' हालींच शिल बुक ट्रस्टाचे वतीन उजवाडा आयला.

चे पयलीं ह्याच पुस्तकाचो कोंकणी रुपकार रवीन्द्र केळेकारांनीच १९६२ स'नवी शाळा' ह्या नांवान केल्लो आनी तो 'गोमन्त भारती प्रकाशना'न संगार साहित्या'चे येवजणे खाला उजवाडा हाडिल्लो. मुक्तताये उपरांतच्या ळांत उजवाडा आयिल्लें हें पयलेंच कोंकणी पुस्तक. गोंयच्या लोकांची ती संस्कृताय समृद्ध जावची हे आंतरीक इत्सेन तेन्ना रवीन्द्रबाबान बरयल्लें स्तक. ताची गवाय ह्या पुस्तकाच्या 'निवेद्यां'तल्यान मेळटा.

ामच्या समाजांत शाळांक एक म्हत्व आसा तशी प्रतिशठाय आसा. णशाळा चलयतना कांय गजालींचेर फावो तितलें लक्ष आमी दिवंक ना. ात शिकोवप्याची सुवात भोवच म्हत्वाची. शिक्षकाक अध्यापन आनी ध्ययन वांगडाच करचें पडटा. शिक्षक जावप ही एक साधनाच. पूण आमी ेांत, खंयच नोकरी मेळना म्हणटकच शिकोवपाची चाकरी करपी आनी ब चाकरी मेळटकच ही चाकरी सोडपी असले दोन व्हड्यांचेर पांय वन ह्या वेवसायांत जायते जाण आयिल्ले आसतात. असल्यांनी कोणाचोच ा जायना. शाळा म्हळ्यार संस्कार केंद्रां हें आमी विसरतात. आनी ताका ात नवे पिळगेच्या फुडाराची आनी चारित्र्यसंपन्नतेची बुन्यादच सारकी जा. हे फाटभुंयेर समाजाचो विकास कसो जावंक पावतलो ?

ोजुभाई बधेका हे एक नामनेचे शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञ. गिजुभाईंकय वद्रनाथ टागोर, महात्मा गांधी हांचे भाशेन भारतीय शिक्षणवेवस्थेंत बदल लो जाय आशिल्लो. ताका लागून मॉंटेसरी पद्धतीन प्रभावीत जावन ी १९२०त बालमंदिराची थापणूक केली आनी आपणाल्या विचारांक, ांक संस्थेची बसका दिली. जें काम बंगालांत 'शांति निकेतना' वरवीं वद्रनाथ करताले तेच तरेचें काम गिजुभाई 'बालमंदिरां'तल्यान करूंक ाले. होच आगळो वेगळो शिक्षणीक प्रयोग गिजुभाईंनी 'दिसा सपनां'त ा.

ुरग्यां वांगडा नवे नवे प्रयोग करपी आनी शिक्षणशास्त्रांतल्या मुळाव्या धांताची फोडणिशी करपी अशें हें पुस्तक. पूण तातूंत कर्मकांड सांगपी सिद्धांत नात. तातूंत शिक्षणा कडेन पळोवपाची काळा भायरी जाल्ली पयस दवरपी एका अध्यापकाची काणी आसा. तशी ती काल्पनिकूच. ाणयेंत लक्ष्मीराम हो एक शिक्षक भोव उमेदीन भुरग्यां वांगडा शिक्षणाचे नवे प्रयोग चालीक लायता. हे प्रयोग खरेच दिसतात. भुरग्यांचे मेकळे ी स्वावलंबी वृत्तीक सारें पोसवण दिवन तांचें म्हत्व वळखुपी ही ादायिनी व्यक्ती. तागेल्या वर्गांत शिकप्यांचो पुस्तकी घुस्मटमार जायना ी तांचे सभावीक गुणय अंदून उरनात. ताच्या वर्गांतलीं भुरगीं भुरगेपणाचो द लुटत शाळे भोंवतणच्या संवसाराक उमेदीन आनी खंबीरपणान कारा वतात. आनी, शिक्षणीक वर्साच्या निमाण्या दिसा नेमिल्ल्या क्रमीक



पुस्तकांचो परंपरागत पद्धतीन अभ्यास केले बगर हेर शिकपी भुरग्यां सांगातान हींय भुरगीं 'परिक्षेंत' बरे तरेन पास जातात.

आमी भुरग्यांच्या संवसाराचो, तांच्या आवडी-नावडिंचो विचार मतींत घेनासतना, तांचे बौद्धीक आनी शारिरीक तांकिचो विचार करी नासतना जायत्यो अपेक्षा तांचेर थापतात. शिक्षणीक संस्थांनी पुरस्कृत केल्ल्या पाठ्यपुस्तकांनी आसा तितलेंच आनी परिक्षेंत बरे गूण मेळोवपा इतलेंच शिकोवप म्हणटकच आपलें काम जालें अशें आयचे सरसमान शिक्षक मानून चलतात. जाल्यार, भुरग्यांक 'बऱ्या' – म्हारग्या शाळांनी घालप आनी जांगेर ट्युशनां घेवंक चडांत चड गर्दी जाता असल्यांगेर तांकां ट्युशनांक धाडप आनी मर्दी मर्दी मार्क उणे घेवन आयल्यार तांकां भेशटावप म्हणटकच आपणें आदर्श पालकाची भूमिका केली अशें सरसमान 'सुशिक्षीत' पालक समजतात. हांतुंतल्यान, शिकपी भुरगें आनी ताचें भुरगेपण घुस्मट्टा आनी ताची सभावीक वाड खुंट्टा हे विशीं आयज आमी येवजूंक वचनात. भुरग्यांचे निरागसतायेक प्रामाणीकपण, आनी खंयच्याय कामाक ओंपून दिवपाचे कृतिची जोड दिवन तांकां 'खरीं मनशां' करपाक जाय जाल्यार तांचे मदले जिज्ञासेचो विकास जावपाक जाय. पूण तांची अशी वाड जायना आनी तांकां उपाय ना जावन शाळांच्या बंदखणिंनी दीस काडचे पडटात.

हे फाटभुंयेचेर गिजुभाईचें हें पुस्तक आमचे दोळे उकते करता. हातुंतलो शिक्षक लक्ष्मीराम परंपरागत अभ्यासक्रम उशीक उडयता. सुदैवान ताच्या प्रयोगांक शिक्षण विभागांतल्या एका अधिकाऱ्याचो पालव मेळटा. ताका जाय तशी मेकळीक मेळटा. आनी ताकाच लागून असंभव दिसपी ताचो हो प्रयोग तो तडीक पावोवंक शकता.

आपणाल्या कामाक सुरवात करचे पयलीं पयल्या दिसा सावन निमाण्या दिसा मेरेनचो नकरोच तो तयार करता. 'हें काम जातलें, ताचे हे परिणाम जातले, वर्स अशे तरेन चलतलें.' ही येवजण आनी फुडाराचीं सपनां घेवन तो शाळेंत वता. पयल्याच दिसाचो ताचो अणभव पळोवपा सारको. कारण

हाचेरच ताच्या निमाणच्या दिसाचो परिणाम आमकां मेजपाक येतलो.

ताची वळख मुखेल अध्यापक भुरग्यांक करून दिता. ताका भुरगे 'गालांतल्या गालांत हांसतातशे' दिसतात. आनी तो मनांत म्हणटा, 'पुराय एक वर्स हांच्या सांगतांत दीस काडपाचे आसात. ह्या मस्त्या, आडांगी, गालांतल्या गालांत हांसतल्या विचित्र भुरग्यांक शिकोवपाचें आसा म्हाका.' ताका काळजांत धस्स जाल्ले वरी दिसता. पुणून तो म्हणटा, 'जावं... कांय नज... इल्लें इल्लें करून सगळें सुसंगीत चलपाक लागतलें.' ताणें येवजिल्लें तशेंच उपरांत जाता. पूण ते आर्दी भुरग्यांक कितल्योशयोच संवंयो लावपाक, नव्यो गजाली आंगवळणीं पडपाक सुरवेचे कांय दीस, न्हय, म्हयनेच लागले. 'थंडसाणेचो खेळ' खेळपाचे पयल्याच दिसाचे कार्यावळीक भुरग्यांच्या वागपान सुरींग लायलो. इतल्या वर्सांच्या संस्कारान करमेल्लीं तीं भुरगीं ताचें असलें म्हणणें सोंपेपणीं थोडींच आयकतलीं! आतां मेरेन बोवाळ, गडबड, अवेवस्तीतपणाच्या वातावरणांतल्या भुरग्यांक थंडसाणेचो खेळ पयल्याच दिसा शिकोवप म्हळ्यार पिशेपणाचें हें ताका रोखडेंच कळटा. पूण तांचेर तिडकप म्हळ्यारूय हार मानिल्ले वरी जातलें. देखून, ताका सुटी दिवन तो आपणाले चुकिचो विचार अंतर्मुख जावन करता. ताचे सांगाती आनी हेडमास्त्तर ताका हे संबंदान धारेर धरतात. आपणाक विचारी नासतना सुटी दिली हाचीय हेडमास्तराक तिडक मारता. 'ही मुळावी शाळा. हें तुगेलें लक्षबिक्ष हांगा चलपाचें ना. सणसणीत बरें फुलयलें म्हणटकच भुरगे गप्प पडटात. अशें विचारी नासतना बेश्टी भुरग्यांक सुटी दिवंक येता? बाकिचे मास्तर शिकयतात तसो शिकय' (पा.७) अशें हेडमास्तर म्हणटा. तेन्ना लक्ष्मीराम ताका जी जाप दिता ती तितलीच म्हत्वाची. तो म्हणटा, 'सणसणीत बरें फुलोवन शिकोवपाचें काम सगळेच मास्तर करीत आयल्यात. ताचे परिणामय स्पस्ट बरे दिश्टी पडटात. भुरगे असभ्य, हुतहुते, अवेवस्थीत, रानवटी जाल्यात... तांकां शाळा आवडना, सुटी म्हणिना फुडें पळेयात कशे उडक्यो मारून घरा गेले ते...'

पयल्या दिसाच्या अणभवान समजल्ली चूक ताणें दुसऱ्या दिसा केली ना आनी ताचो परिणाम रोखडोच सगळ्यांक दिसलो. ताणें काणयो सांमपाक आनी तातुंतल्यान 'नवे तरेचो थंडसाणेचो खेळ' शिकोवपाक सुरवात केली. तातुंतल्यान ताणें कितल्याश्याच बऱ्या गजालिंची भुरग्यांक संवंय लावपाक सुरवात केली. तीं आतां वेळार शाळेंत येवपाक लागलीं. शिस्तीन बसपाक लागलीं. तांकां काणयो आयकुपाक आनी वाचपाकूय आवडूंक लागल्यो. ताका लागून भास कशी वाचची, तिचीं वेगळीं वेगळीं आंगां, तिची सुंदरकाय, तिची बरपावळ हाची वळख जाली. अक्षर निवळ आनी सुंदर काडपाचे तांचे प्रयत्न सुरू जाले. आनी अशे तरेन तांची भास घट जातकच मुखावेलें शिकप तांचेर कसलेंच चेपण हाडनासतना चालीक लावप लक्ष्मीरामाक कठीण जालें ना. ताच्या ह्या प्रयोगाची वळख करून घेवपाक मुळांत सावनच पुस्तक वाचून घेवंक जाय.

लक्ष्मीराम जे प्रयोग करतालो तांकां पयल्यान पयलीं जैत मेळटालें अशें न्हय. सांगाती अध्यापकांच्यो बकच्छायो, थोमणे, हेडमास्तराचो आनी पालकांचो राग आनी तिडक सोंसत ताणें पयले कांय म्हयने काडले. निमाणें ताच्या मनांत भुरग्यांच्या आवय-बापायची बसका घेवंची, तांकांय खेळाचें म्हत्व सांगचें, तांचो आधार मागचो अशें आयलें. आपणाल्या भुरग्याक बरें शिक्षण मेळपा खातीर आवय-बापूय आधार दिले बगर रावचे नात हाचेर ताचो विश्वास आशिल्लो. पूण हांगाय ताचो अणभव समाधानकारक नाशिल्लो. ४०तले सातूच बसकेक आयिल्ले. तांचे मुखार ताणें आपणाल्या शिक्षणा विशिंचे विचार मांडले. पूण जालें कितें? हेडमास्तरान सांगलें, 'आयज तुवें गाढवां मुखार गीता वाचली... सगळें तांच्या माथ्यावेल्यान गेलें...' सहकाऱ्यांनी म्हळें, 'सामको वेव्हारशून्य मनीस हो.'

भुरग्यांचे ओडीन आनी तांचेवेल्या विश्वासान घट उबो रावन लक्ष्मीर मुखावेल्यो आपल्यो कार्यावळी चालीक लायत रावलो. मर्दी मर्दी बेरी वजाबाकिच्या हिशेबांत शिल्लक कितें पडलां हाची तो नियाळणी करत वाचनालयांत थोडींच पुस्तकां जमल्यांत, भुरगे भियेनात पूण खेळांत शि ना, बोवाळ तितलोच उणो जावंक ना, निवळकाये संबंदान कांय सुधार ना. आनी जाणें प्रयोगाची मेकळीक दिल्ली ताकाय अभ्यासाचो हुस्को जावं लागला. सांगात्यांचो विश्वास आजून संपादूंक पावंक ना हाची सगळ्या जाणविकाय ताका जाता. पूण आपणाले पद्धतिचेरूय ताचो तितलोच स विश्वास आनी भावार्त आसता. काणयो आनी खेळ म्हळ्यारूच भुरग्य अर्दें शिक्षण अशें तो मानता आनी तेच दिकेन आपणालीं पावलां उबारता

चार प्रकरणांनी वांटिल्ल्या ह्या पुस्तकाचो पयलो वांटो हांगा सोंपत दुसऱ्या दोन वांट्यांनी लक्ष्मीरामान केल्ले वेगवेगळ्या विशयांतले प्रयोग आ खेळाच्या माध्यमांतल्यान भुरग्यांक त्या विशयांची लायिल्ली गोडी हां काणी आयल्या. ह्या भुरग्यां मर्दी विशयाचें प्रेम तो जागयता आनी ते बराबर तांकां सांगता, 'आमच्या वर्गांत कोण पयलो येना, कोण दुसरो येन जाका कविता येता तो कविता म्हणटा... येना तो आयकता आनी शिकू मागीर म्हणटा... एकल्याक येता तें दुसऱ्याक येना जाल्यार येना ता तो तें शिकयता...' (पा.२९).

कसल्याच अडेच्या साधनां बगर लक्ष्मीराम भुरग्यांक इतिहास शिकयत भुगोलाची वळख करून दिता. शुद्धलेखन घालता, व्याकरण, विज्ञान शिकय आनी 'वर्सा अखेरच्या मेळा'क तांकां तयार करता आनी हीं भुरगीं आपणा आगळे तरेन परिक्षा दिवंक लागतात. ताच्या वर्गांतल्या सगळ्यांकच पा करतां म्हणपी शिक्षण अधिकाऱ्याक तो तशें करूं नाका म्हूण सांगता. कार सगळ्यांक सारकें शिकोवनूय सगळे सारके शिकूंक नात हें तो जाणा. का जाणांक शाळेंतल्यान मुक्त करपाक जाय अशें ताका दिसता. हे भुरगे शाळे नालायक न्हय तर शाळा तांचे खातीर नालायक, तो म्हणटा. 'ज्या कामा ते लायक तें काम तांकां शाळा दिना' (पा.९२). वर्साच्या अखेरच्या मे दिसा शिक्षण अधिकारी ताची फाट थापटिता. ताणें आपणाल्याय विचारां बदल घडोवन हाडला म्हणपाचें मान्य करता. आनी 'पोरणे तरेचें मुळा शिक्षण आतां वचूंक जाय. आमचे सारकेल्या पोरण्या शिक्षकांनी आनी शिक्ष अधिकाऱ्यांनी आपूण जावन कडेक सरूंक जाय आनी नव्या कल्पक विचा शिक्षकांक सुवात करून दिवंक जाय' म्हणपाचें सांगता (पा.९५).

रवीन्द्र केळेकारांनी अणकारिल्ल्या ह्या पुस्तकाक वाचपी येवकार दितलेच गुजराती भाशेचेरय (आनी कोंकणीचेरय) प्रभुत्व आशिल्ल्या केळेकारां भोव सुंदर आनी सहजतायेन ह्या पुस्तकाचो अणकार केला. कोंकणींतल जायत्यो म्हणी, ओंपारी ज्युस्ताक ज्युस्त वापरून भाशेचें लालित्य पा कणकणी खेळयलां. ह्या पुस्तकाक शिक्षणाच्या मळार सामक्या आदल तेंपा सावन, म्हळ्यार, भारतीय गुरुकूल पद्धती सावन मॉंटेसरी पद्धत मेरेन कसले कसले प्रयोग जाले ते विशिंचे प्रस्तावनेची जोड मेळिल्ली जाल्या गिजुभाईंच्या आगळ्या प्रयोगाचें म्हत्व वाचप्यांक अदीक बरे तरेन कळट आशिल्लें अशें म्हाका दिसता.

दिसा सपन
गिजुभाई बधेका
अणकार : रवीन्द्र केळेकार
नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, २०००
पानां : ९५
मोल : ३० रुपये

REGD. No. GOA 1